# कोंकणी काव्यसंग्रह



# कोंकणी काव्यसंग्रह

# कोंकणी काव्यसंग्रह

संपादक :

बाकीबाब बोरकार

साहित्य अकादेमी, नवी दिल्ली

*Konkani Kavya Sangraha :* ( An Anthology of Konkani Poetry )
Compiled and edited by B. B. Borkar.
New Delhi ( 1981 ) Sahitya Akademi,

© Sahitya Akademi
First edition : 1981

Publisher :
Sahitya Akademi
Rabindra Bhavan,
35, Ferozeshah Rd ,
New Delhi 110 001

Printer :
Timblo Printers Pvt. Ltd.,
Timblo Printing House,
Davorlim, Margaon,
Salcete, Goa 403 601

SAHITYA AKADEMI
REVISED PRICE Rs. 60-00

# करंड सोडचेंचे पैलीं

आमगेली कोंकणी भास ही संसारांतली एक भौच मोवाळ, म्होंवाळ आनी मंजूळ भास अशी तिजी तोखणाय देशी विदेशी अनेक वाग्विदांनी आनी रसविदांनी केल्ली आसा. पुण त्याच बरोबर ती छांदसय बी. छांदस दोनय अर्थांनी. जशी शिटकावपी ह्या अर्थान तशीच देशी विदेशी खैंचोय छंद सहज आपणावपी ह्याय अर्थान. जसो लोक तशी तांची भास. आमचो लोक साक्षर जावं, निरक्षर जावं, चांटेपावलाक चडसो प्रतिमांनी, प्रतीकांनी आनी रूपकांनी उलयता. उदक खतखतून ताका बोंबाडे येवंक लागले म्हण्टकच तो, 'उदकाक फुलां आयलीं' म्हण्टा. गावड्यांतलो रायबारी मध्यस्तेक वता तेन्ना चेडवाच्या बापायक तुगेलें चेडूं वाडलां अशें म्हणना, तर 'हांगा एक फूल पोरमोवता म्हुण आयकोलें' अशें म्हण्टा. ओपारींनी आनी वाक्प्रचारांनी उलवप ही तर आमच्या लोकांची वजच. एक 'हात' हें उतर घेतलें जाल्यार ताजेर आधारिल्ले कितले तरी वाक्प्रचार! 'तो हातावेले पाखे करता,' 'ताणें भुसार असुदाय हात माल्लो.' 'ताजे हात म्हज्या पोटांत गेल्यात', 'तो हात पांगरून बसला', 'ताणे ताज्या माथ्या वेल्यान हात भोवडायलो.' 'ताणें कानार हात दवल्ले', 'तो अल्लाचो हात दाखयता', 'ताणे गंवाचो हात 'लायलो', 'आपलो हात जगन्नाथ,', 'हात दाखोवन, अवलक्षण.' एका 'हात' ह्या उतरावेल्यान घडेल्ले हे वाक्प्रचार आनी ह्यो ओपारी पळेल्यो म्हण्टकच आमची भास जातकच कशी छांदस हें स्पष्ट करून लक्षांत येता. आमचो लोक मुदलांतच संगीताचो मोगी जाल्ल्यान आमचे भाशेक आपणालें खाशेलें एक अंतःसंगीत आसा. ह्या संगीताक सहज जे कोंब फुट्टात तेच छंद. असले छंद आमचे भाशेंत इल्लेतिल्ले नात. आमच्या कश्टी कुळवाडी लोकामदीं आनी जाण्ट्या बायलांच्या तोंडीं विपूल छंद घोळटात. तांचें संशोधन संकलन निकरेंच जावंक लागलां. जुजे पेरेर आनी मिकायेल मार्तींश हांणी धा वर्सां फाटीं छापिल्ल्या 'देखणी' ह्या पुस्तकांत तीस छंदांची नोंद केल्ली आसा. सोद घेतल्यार सांडिल्ले शिंपडिल्ले आनीक कितले तरी छंद सहज हाताक लागतले. त्या मुळाव्या छंदांच्या आधारान कल्पक कवीच्यान कितले तरी नवे छंद घडवं येतीत. आमची भास सभावान छंद–सुलभ जाल्ल्यान आर्य आनी द्रवीड भासांतले छंद तर तिणें उखल्ल्यातच. इतलेंच न्हय तर तिणें विलायती छंदय आपणायल्यात आनी थळाव्या छंदांचेर भायल्या छंदांचीं कलमां करून नवे छंदय घडयल्यात, हें

आमगेल्या पूर्वसूरींचीं कवनां आनी आमच्या किरिस्तांव भावांनी घडिल्लीं कातरां पळेल्यार सहज पटटलें. आज ज्याका फिल्मी संगीत म्हणून वळखतात तें हांणींच सुरू केलें. जे भाशेक अशी विपुल व्यंजनाशक्त आनी समृद्ध छंदशक्त आसता ती काव्याचें सहज आनी समर्थ वाहन जाली जाल्यार नवल तें कसलें ? त्याभायर आमचे हे भाशेक आनीक एक बळगें आसा. तें म्हळयार अन्य भासांतलीं संत्रकळेक आयिल्लीं उतरां आपल्या निजाच्या नेमांप्रमाण माल्शीं बदलून आपलीं करून घेवपाचें. ताका लागून तिजी मुदलची तांक निरंतर वाडत उल्ल्या. तिका लागून ती सुक्षिमांतलो सुक्षीम भाव जावं वा गहनांतलो गहन विचार जावं जड गुळो संस्कृत उतरां घालिनासतना सहजपणान सांगूंक शकता. असले हे काव्यसुलभ भाशेंत पैलें काव्य केन्ना घडलें हें कोण सांगतलो ? जे पैले आवयन आपल्या भुरग्याक पैलीं आल्लय वा गीत म्हळें जातलें तिज्या म्होवाळ मुखांतल्यान कोंकणी काव्याची गंगोत्री सुरू जाली. ती मुख परंपरेन शेंकड्यानी वर्सां व्हांवत उल्ली आनी कोंकणी जनमानसाची भिजवण रुजवण करीत रावली. फुडें जेन्ना बरौन दवरपाचो काळ आयलो तेन्ना आमचे हे भाशेंत काव्यां, पुराणां बी जावंक लागलीं. इसवी सनाच्या सोळाव्या शेंकड्यांत जेन्ना आमच्या धर्माचेर आनी संस्कृतायेचेर फिर्गी सत्तेची हावळ आयली तेन्ना आमच्या देवळांबरोबरच थंय सांबाळून दवरिल्ले कोंकणी काव्यग्रंथय तिजे भकीक पडले. तांतलें कांय पाद्री तोमास इस्तेंव्हान पळेल्ले जातले. तशें नासतें जाल्यार आपणें बरैल्ल्या कोंकणी व्याकर्णाचे प्रस्तावनेंत आपणें तें कवी आनी पुराणकार हांकां उपकरा पडचें म्हणून बरैलां, अशें तो म्हणचो नाशिल्लो. सोळाव्या शेंकड्यांतलो कवी कृष्णदास श्यामा हाचें कोंकणी गद्य पुर्तुगालच्या आर्किव्हांनी सांपडलां. त्या गद्यापैलीं कोंकणी काव्याचें पर्व जावन गेल्लें आसूंक जाय. कारण संसारांतल्या साहित्याचो इतिहास पळेल्यार भास साहित्यरूप घेतना पैलीं काव्यांत गायता आनी मागीर गद्यांत उलयता. कृष्णादास श्यामांच्या कोंकणी गद्याची आयट आयचे कोंकणीचीच आसा. हाजेवल्यान ही तिची आयट सोळाव्या शेंकड्यांतच थीर जाली हें स्पश्ट दिसता मॅक्समुलरान एकेकडेन म्हळां कि साहित्याचें एक मोटें पर्व पैलीं जाल्लें आसल्याबगर भाशेक थिराय येना. हो तागेलो सिद्धांत खरो आसल्यार सोळाव्या शेंकड्याच्या दोन तीन शेंकडे आदीं अशें साहित्यपर्व कोंकणींत जावन गेल्लें आसूंक जाय. शिलाहार कदंबाच्या काळांत तें जावन गेलां जावंये. तशें नासतें जाल्यार तेराव्या शेंकड्यांतलो संत नामदेव आपणें बरैल्ले एके गवळणींत आमगेले कोंकणीक कानडी, मराठी, हिंदी आनी गुजराती ह्या भासांचे पंगतीक बसौन तिज्यांत एक कोंकणी कडवें घालचो नाशिल्लो. हें सगळें कोंकणी काव्य बाटाबाटीच्या काळांत भस्म जावन गेलें आनी जें थोडें भोव उरिल्लें जायत, तें कसरेचे आनी वायटेचे भकीक पडलें.

त्या काळांत आमच्यो देशी भासो निकत्योच साहित्यान फुल्ंक फळूंक लागिल्ल्यो तेन्नाच फिरंग्यांचे धर्मफोल्ला सत्तेन कोंकणी संस्कृतायेचें आनी साहित्याचें मूळपीठ अशा गोंयचेर मुळानी कुराड चलैली. भारताच्या इतिहासात अशी सर्वभक्षक नंकांत हेर खेंच आयिल्ली दिसना. तिणे कोंकणीचे सगळे सपर्त्तीचो विद्वाट केलो. पुण आमच्या लोकांची प्रतिभा आनी साधना ती ग्रासूंक शकली ना. काळाचेरय मात करून त्यो जगल्यो आनी तिगल्यो. आमचो लोक गोंय, महाराष्ट्र, कर्नाटक आनी केरळ ह्या चार राज्यांनी फांसळ्ळो आनी मराठी, कन्नड, मलयालम अशा तीन भासांनी वांटलो. प्रतिकूळ परस्थितींतल्यान वाट काडपाक आमच्या लोकाक त्या देशी आनी पुर्तुगेज, इंग्लेज , फ्रांसेज, लातीं बी विदेशी भासांची उपासना करून आपणाले प्रतिभेची आनी साधनेची पोसवण करची पडली. आमच्यांतल्या शिक्षितांनी आयिल्ल्या अग्निाक तोंड दिवंक ही अशी वाट काडली. निरक्षर भौस असे परिस्थितींत कितें करतलो आशिल्लो ? हरयाळे भाशेन तो कोंकणीकच घांस मारून रावलो. जें कोंकणी काव्य ताजे यादस्तेंत आशिल्लें तें तागें सांबाळ्ळें आनी आपले तांकी प्रमाण तो तातूंत भर घालीत रावलो. आपत्कालांत कोंकणी काव्य रावलें तें तागेंच. परचक्राक लागून कोंकणी काव्याची इमारत जरी जमनी भरवण जाली तरी आमच्या ह्या भौसाचे पुण्यतायेक लागून तिजी बुन्याद घट उल्ली.

आमच्यांतल्या सुविद्यांनी काव्याचे उपासने खातीर अन्य भासो घेतल्यो खऱ्यो पुण ' जिवीं आशिल्लें कोंपरी फुट्टा ' ह्या न्यायान अदीमदीं तांगेलें कविमन तुरळक जायना कोंकणीत उलैंक लागलें. कृष्णदास श्यामा, सोयरोबा आंब्रयो बी कवी मराठींत बरैताले खरे. तरी तांगेले रचणुकेंत कोंकणी उतरावळ आनी मोडी कवित्वाच्या उमाळ्या सरशीं आपसूक भरसूंक लागल्यो. कृष्णभट बांदकाराले रचणुकेंत हो असो प्रकार तर जालाच. त्या भायर ताणी कोंकणींत बरींच कवनां आनी गीतां रचलीं.

' पूत जातित जायते '
रामाक लागतित काय ते ?
बापायचें उतर मोडिना जावंक
वनांत वतित काय ते ? '

ह्या मुखड्याचें तांगेलें गीत हांवें भुरगेपणांत आयकल्लें.

' तूं खैचो ? ' ' फोंडें गांवचो. ' ' खंय वता ? ' ' कुंडय, लग्नाक. !' ' कोणागेर ?' 'तळयां कामतीगेर'. 'केदेवेळचें लग्न ?' 'अमोरेर गोंधळीक वडाच्या मुळां ' ' हांव येवं ! ' यो, वडे पोळयो खा, चोरू नाका संत्री, जोतें सबळें बी । शी, हें दशा वचचेलें काम करशी जर तूं , रोखडिच तुजी मनसुबी ॥

असले शार्दुलविक्रिडितांत बांदिल्ले तांगेले सहज सुंदर संवाद आयज म्हाका तोंडपाट आसात. तांगेलें असलें कितलें तरी काव्य विसरायेच्या कोयरांत ना जावन

गेलें. तांचें एकट्याचेंच न्हय तर अनेकांचे. कर्नाटकांत पावील्ल्या आनी थंय स्थायिक जाल्ल्या आमच्या लोकांत संतीण आवडीबाय, संतीण जोगव्वा, वरकरी संत समर्थ अप्पय, संत सहजानंद, श्री शिवरामाश्रय स्वामी अशा जायत्या नामनेच्या कवींनी विपुल कोंकणी कवितां बरैलीं आसात. हे सगळे कवितेचें संकलन संशोधन जाल्लें जाल्यार सोळाव्या शेंकड्याक सावन विसाव्या शेंकड्यो लागतासर कोंकणी कवितेन आपलें साधनेन कितें जोडलें हें सांगूंक येतलें आशिल्लें. ह्या संग्रहांत सहजानंदांची आनी शिवरामाश्रम स्वामीची एक एक कविता दिल्या. तांतल्यान हे जोडीचो जो थोडो अंदाज येता तितल्याचेर आज संतोष मानचो पडटा.

सोळाव्या शेंकड्याक सावन विसावो शेंकडो लागतासर गोंयांतलो आमचो लोक परसत्तेचे चांटेमुळा चिड्डून उल्लो आनी भायल्या प्रदेशांनी फांसळिल्लो आमचो लोक परागंदा जालो. अशे दुर्धर परिस्थितींत कोंकणी काव्य केवळ निजाचे जिवटसाणेक लागूनच कांठ्याक जीव धरून रावलें.

निष्ठेन जेन्ना समाजाची अशी उपासना शेंकड्यांचे शेंकडे चलत उरता तेन्ना एक दीस ताज्या जिवाचे हावेस आनी उत्कर्के प्रगट करपी द्रष्टो दीपंकर पुरुष तांच्यांतल्यान निर्माण जाता आनी तो ताजे अस्मितायेक हौरावंक लागता. कोंकणी आत्म्याच्या उत्थानाचें हें युगप्रवर्तक कार्य शणै गोंयबाबांनी केलें. ताणीं कोंकणीचो सर्वार्थानी कायाकल्प केलो आनी तिज्यांतल्यान पैल्या दर्जाचें साहित्य उपरासूंक शकता अशी आपले साहित्य निर्मणेन तट्टटित गवाय दिली. ज्या ज्या साहित्य प्रकाराक ताणी हात लायलो ताजें ताजें ताणी भांगर केलें. 'गोंयकाराचो मुंबैकार' हें कटाव – काव्य बरौन आमच्या आत्महीणपणाचेर ताणीं चाबकां ओडलीं. आमच्यां-तलो सुविद्य लोक कोंकणीची साहित्यिक तांक वळखूंक लागलो. पुण ताका अन्य भासांत बरोपाची संवय लागिल्ली. ती मुटपाक कठीण जाल्ल्यान तो विकल्पच काडूंक लागलो. पुण ताचें वायफळपण ताजें ताकाच कळूंक लागिल्लें. अशा वेळार बयाभाव, दिनकर देसाय, गुंडू सी. आमोणकार, वि. कृ. नेरूरकार, श्रीपाद महादेव वर्दे बी मंडळी कोंकणींतल्यान कनीत करूंक लागली. म्हजे सारकेल्यानय एकाद दुसरी कोंकणी कविता बरैली. पुण ही आशिल्ली वटिल्ल्या रुखाक आयिल्ली तुरळक पालय. अजून कोंकणी आत्म्याचेर खरेलो भार येवंक नाशिल्लो.

तो आयलो १९४६ च्या १८ जुनाक. त्या दिसा भारताचेर आक्रमण करपी पैल्या येवरोपी सत्तेचेर डॉ. लोहियांनी पैलो प्राणांतिक घाव घालो आनी तिज्या साम्राज्यशायेक हादरो दिलो. हे पैलीं गोंयांत बंडांचे उठाव थोडे जावंक नाशिल्ले. पुण त्या हादऱ्याक लागून जो उठाव जालो तो केवळ सादोसुदो नाशिल्लो. तो स्वातंत्र्याच्या संग्रामपर्वाचो, इतलेंच न्हय तर गोंयचे जिणेच्या क्रांतीचो आरंब आशिल्लो. म्हज्यांतल्यान तीं संग्रामा गीतां एका फाटोफाट उलौंक लागलीं.

तातल्यान म्हाका कोंकणीचे काव्यशक्तीनें दर्शन घडलें आनी मागीर प्रेमगीतां, निसर्गगीतां, भावगीतां चीं अनेक गीत प्रकार म्हजेकडल्यान जावंक लागले. हांवें जे अनेक भासांतल्या साहित्याचे संस्कार जोडिल्ले आनी मराठी काव्याची जी उपासना केल्ली ती म्हाका त्या वेळार फळाक आयली. काळजांतले उमाळे कोंकणीच्ये लालित्य आनी संगीत घेवन शब्दबद्ध जावंक लागले. स्वातंत्र्याच्या ध्यासाक लागून तातूंत नव्यो जाणविको समर्थपणान व्यक्त जावंक लागल्यो कोंकणी आत्म्याचे ध्यास-भास उलोंक लागल्यो आनी भविष्याचो वेध घेवंक लागल्यो. पुण ही सगळी कविता परंपरेचें पुनरुज्जीवन करपांत मग्न जाल्ली. कोंकणी मानसाचें आनी गोंयच्या सैमाच्ये उद्गायन करपांत रमिल्ली आनी कोंकणीची मोवाळसाण, म्होवाळपण, मंजूळकाय आनी हांय परांची छावसकाय हांचो थाव घेवपांत गुल्ल जाल्ली. १९४६ ते १९६० ह्या चवदा वर्सांत बरैल्ली ही म्हगेली कविता १९६० वर्सा 'पांयजणां' ह्या नांवान संग्रहरुपान प्रसिद्ध झाली.

नभाळांतल्यान आनी मुंबय आकाशवाणी वेल्यान म्हगेली ही कविता प्रसिद्ध जाताली आनी लोकमानसांत मूळ धरताली तन्ना १९५५ सावन मनोहरराय सरदेसाय हांगेली कविता म्हगेल्या 'प्रजेचो आवाज' ह्या पाक्षिकांतल्यान उजवाडाक येवंक लागली. तन्ना ते पारिसाक वरिष्ट शिक्षण घेताले. तांगेली ही कविता गोंयचे उमळशिकेन खासावीस जाताली. स्वतंत्रतायेच्या मागान खतखतताली आनी गोंयच्या सैमाच्या यादस्तींनी हास्काहुस्कारताली. पारिसांतल्या अत्यंत आधुनिक अशा काव्य प्रवाहांची बळस्त पाळख आशिल्ल्या ह्या कवीचे कवितेन छंद सामको सोडूंक नाशिल्लो. पणून यमकाचें बंधन बालांडून आपलो सगळो तोल लयीचेर दवरिल्लो. तिजो दुसरो म्हत्वाचो लक्षणीय विशेष हो आशिल्लो कि तिणें हिंदु, किरिस्तांव, मुसलमान वी वैंच्याय कोंकणी मनशाच्या मनाक सहज भिडत अशी स्वताची शब्दकळा निर्माण केल्ली. अर्थातच कोंकणी कवितेच्या विकासाचें हें फुडलें पावल आशिल्लें. तांगेली ही कविता १९६१ वर्सा 'गोंया तुज्या मोगाखातीर' ह्या नांवान पुस्तकरुपान प्रसिध्द जाली. मनोहरराय हे एक श्रेष्ठ कवी म्हणून तर फुडें आयलेच. पुण त्याचबरोबर कोंकणी कविता आपुण सगल्या आंगांनी फुलैतलो आनी सर्वस्वी तिजेच सेवेक वावुरतलो अशें ताणीं व्रत घेतलें आनी भुरग्याली गितां धरून जपानी 'हायकू' सारक्या सुभाषित सदृश कवितेमेरेन कवितेचे तरंकतरांचे घाट ते व्हडा संख्येन निर्माण करूंक लागले. तांचे हे कवितेचें कोंकणी समाजाच्या सगळ्याच थरांक आपली ओढ लायली. तांचे कवितेचें पुस्तक प्रसिद्ध जालें त्याच वर्सा गोंयचे तापत्रय सोंपून तें फिरंगी सत्तेच्या बंदपासांतल्यान मुक्त जालें. ताजे मुक्तीन भारतीय स्वतंत्रतायेचें पर्व पुरतें जालें. हे अपूर्व राष्ट्रीय घटनेक लागून गोंयचो

सगळे लोक अपार आनंदान अष्टांगांनी नेचल्लो आनी ती शिरशिरी हेरा राज्यांनी पांगिल्ल्या वट्ट कोंकणी लोकाक सुखान सर्गादन करून गेली. ते शिरशिरेन तांतल्या कितल्या उदयोन्मुख कवींक पांखां फुटलीं हें कोण सांगतलो? १९६३ साल उजवाडपाक आपल्या कवितांचे पांच झेले एकाच वेळार प्रसिद्ध करून र. वि. पंडित हे एक समर्थ आनी बहुप्रसव कवी म्हणून प्रगट जाले. तांगेली ही कविता म्हाका प्रसिद्ध नावंचे पैलीच वाचूंक मेळिल्ली. ती वाचली तशी म्हजी मनोमन खात्री जाली कि ही वाणी मुळयाची. हो निर्मळ, मस्त आनी जिवस गावड्याचेर भायिल्लो भार. तो फाल्यां जें उलैतलो ताजी ही वाणी. ही कविता वाचली तशी म्हाका वोल्ट व्हिटमनचे कवितेची याद जाली. चड करून ती घोग्यांना कोसळटा. ओज, आवेश, वेष, किंवाटो, तिडक, उपहास ह्या गुणांनी ती उपाट भरिल्ली आसा. भव्य विचारांचें तिका सुमाराभायर आकर्षण आसा. वैयक्तिक भावनेपरस सामाजिक भावनेचीच तिका चड ओढ. तिची न्यायाची चाड अन्यायाचे चिडींतल्यान चड करून प्रगट जाता. प्रसंगी ती नाजूकय जाता, मिताक्षरींत उलयता, अंतर्मुख जावन जीवनसत्त्य सोदता. पुण ती हळहळटा, तडफडटा ती माणुसकेचें जाल्लें पतन पळोन. खुबता आनी खवळटा ती चिडुल्ल्या आनी माडुल्ल्या लोकांच्या कळवळ्यान. ह्यो दोनय वृत्ती मनोहररायाले कवितेंतय दिसतात. पुण त्यो कला – विधानाचे भान सांबाळून उलयतात. पुण भाराक भान नासता. मंत्रच ताका उलवंक लायता. आनी ह्या मंत्रांतल्यानच ताज्या उतरांत ताजें खाशेलें तंत्र आकार घेवंक लागता. पंडिताले कवितेंत अशेंच जालें. मनोहररायाल्या, पंडिताल्या आनी स्वातंत्र्य आयल्या उपरान्तच्या म्हगेल्या कवितेंतल्यान कोंकणीची एक अज्ञात शक्त पैल्या प्रथम प्रगट जाली. ती म्हळ्यार तिजी चकासून करपी ओजस्वितायः— 'लोकशाय' 'हांव गजा' आनी 'जागी जाल्या गोंयची सासाय' ह्यो कविता म्हजे हें म्हणणेची स्पष्ट गवाय दितात.

'आयलें तशें गायलें' ह्या पंडितांल्या संग्रहाक बरैल्ले प्रस्तावनेंत पंदरा वर्सां फाटीं हांवें म्हळ्ळें, 'वसंताची जाग खंय पयलीं कोगळांक येता आनी मागीर झाडांक. समाज चंवरूंक लागचे पयलीं कवीचे मंत्रालाप प्रगट जावंक लागतात तें ह्याच नेमान. 'गोंया, तुज्या मोगाखातीर' ह्या मनोहरराय सरदेसायाल्या सोबीत संग्रहांत येवंक सोदता त्या उत्थानाची पयली सुलूस दिली. र. वि. पंडितांली कविता हें ताजेंच दुसरें पावल... आतां थोड्याच काळांत झाडान झाड चंवरूंक लागतलें.'

म्हगेली ही भविष्यवाणी आज सर्वांयीनी खरी जाल्या. गोंयची सासाय जागी जावन तिजी वाणी कोंकणी समाजाच्या सगळ्या थरांच्या कंठांतल्यान उलोंक लागल्या. तांनूंत हिंदु आसात, किरिस्तांव आसात, मुसल्मान आसात. दादले आसात तशो बायलो आसात. कविश्रेष्ठ ज्ञानेश्वरान आपले मंत्रपूत वाणीन भागवत

धर्माची घुडी उब्लतकच महाराष्ट्रात जशे सगल्या जाती जमातींतल्यान म्हान म्हड संतकवी निर्माण जाले तसलोच कांयसो प्रकार आतां कोंकणी समाजांत जावंक लागला. ते आज धर्म जागो करतात तो माणसुकेचो. प्रत्येक झाड फुलता चंवरता तें आपापल्या पिंडा प्रमाण. पुण तांतल्यान प्रगट जाता तें ऐश्वर्य मात्र भर्तरी आनी गगन हांच्या मायुज्यानें. ह्या 'भांगरा करंडा'त आयिल्ली चडशी कविता फाटल्या बत्तीस वर्सांतली. ती बारकायेन तरजून पळेल्यार विपुलकायेंत जावं, वा विविधकायेंत जावं, कोंकणी काव्यप्रतिभा कितल्या वेगळ्या वेगळ्या आंगांनी वळत आसा हें सहज लक्षांत येतलें. प्रत्येक कवी आपापले परीन कवितेच्यो नव्यो नव्यो शक्ती सोदीत आसा आनी तिका नवे नवे घाट दीत आसा. वैर उल्लेखिल्लया तीन कवी उपरान्त पांडुरंग भांगी, शंकर रामाणी, लक्ष्मणराव सरदेसाय, विजयाबाय सरमळकार, नागेश करमली, पुरुषोत्तम शिंगबाळ, माधव बोरकार, शंकर भांडारी, उदय भेंब्रो बी कितले तरी नवे कवी आपापलो बाज प्रगट करूंक लागले. हे पिळगेची एक विशेषकाय ही कि आजवेर ज्यांचे वोंठ शिंवल्ले आशिल्ले ते उदंड आत्मविश्वासान आनी सैमी रगी लेगीन उलवंक लागल्यात. पुंडलीक नायक, रमेश वेळुस्कार, प्रकाश पाडगांवकार युसफ शेख, एन्. शिवदास, नूरजहाँ तुघलक बी कवींची कविता कोंकणी कवितेचें एक अभिनब आनी जिवस पर्व उबें करूंक लागल्या. तिका गोंयचे मातयेचो वास आसा, गोंयच्या झगं उदकाची गोडी आसा आनी गोंयच्या गगनाचो घ्यास आसा. आमच्या उपरांत आयिल्ली ही कवींची पिळगी कोंकणी अस्मितायेचे खणींतलें अशात धन वैर काडटली हे विशीं म्हाका इल्लोय दुबाव ना. जी कष्टी कुळवाड्यांची भास साहित्याच्या प्रांतांत आजतगायत येवंक नाशिल्ली ती हांकां लागून आतां साहित्यांत प्रतिष्ठा जोडूंक लागल्या. तांचे जिणेंतल्यो प्रतिमा सौंदर्य रूप घेवंक लागल्यात आनी तांची कविता मुळाव्या आनी थळाव्या जानपद छंदाक भिडूंक लागल्या. हांची ही कविता फुडली वाट रेखतली आनी सगळ्या सौंसाक जागयतली. मागीर सात्री कोनशाक पडिल्ले जानपद छंद नवी जिवसाण घेवन उठले. ह्या कविच्या व्यक्तिमत्वांक संपूर्ण घाट अजून येवचेलो आसा. ताका लागून तांच्या आनी नव्या पिळगेंतल्या हेरा तोलामोलाच्या कवींच्या कवितेचो वैयक्तिक परामर्स हांवें घेवंक ना आनी तितलो हे प्रस्तावनेंत अवसरय ना.

आजवेरचे कोंकणी कवितेन जायते नवे नवे घाट घेतल्यात. ते अन्य भासांतलें काव्य साहित्य वाचलें जाल्यार तशे अपूर्व न्हयत. तें कोंकणीक नवे इतलेंच. पुण आपल्या 'जायोजुयो' ह्या संग्रहांतल्यान मनोहरराय सरदेसायांनी कवितेचो एक अपूर्व आनी अपूरप घाट निर्माण केलो. म्हळ्यार सुभाषित न्हय, म्हळ्यार ओपार न्हय. म्हळ्यार 'हायकू' न्हय. पुण तांकां जुंवळो असो हो प्रकार. ओपारी चडोवपाची जी आमच्या लोकांची सभाविक वज तिणे हांगा एक आगळेंच रूप घेतलां. असले कवितेंत जिणेचें मर्म, प्राणाचो प्रत्यय, प्रतिभेची चमक आनी काव्याचें

अस्सल्पण हांचें सार ऐका ल्हानशा थेंब्यांत प्रगट जावचें पडटा. मनोदगयांनी हो प्रकार सुरू करीन मावन ताजो वसो हांव धरून अनेकांक लागलो. तांच्या इतलो तो मगळ्यांकच सावलो अशें न्हय. पुण हो प्रकार मूळ धरूंक लागला. आनी वळ घेवंक लागला. तो मारको पोसवलो वाडलो जाल्यार संवसारांतल्या वाङ्मयांत 'हायकू' वा शेर हांचे इतलीच हाकाय प्रतिष्ठा येतली. ह्या प्रकाराचें नांव अजून मुक्रर जाल्लें ना. म्हाका दिसतालें तांका 'थीक' म्हणचें. 'मुदयेर थीक' हो वाक्प्रचार आमचे मर्दी आसाच.

ही वव्हंशी स्फुट कविता. फाटल्या बत्तीस वर्सांतली. तिज्यांतल्यान तीन पिळग्यांचे आनी सगळ्या पावंड्यांच्या जातिधर्माचे कवी आपापले उत्कर्क आनी उमाळे उक्ययल्यात. प्रत्येकाचे कवितेक स्वताचो नाखदोळो आसा, खाशेलो ताळो आसा. शिरीलीकी आसा. सौंदर्याचो घाट दिवपाची खाशेली तरा आसा. जिणेचो थाव घेवपाची आपापली सैमाची दिष्ट आसा. आपापले शक्तीबरोबरच भाशेची शक्त सोदपाची आनी प्रगट करपाची उत्कंठा आसा, अगत्य आसा. प्रत्येकाची कविता तशी आगळी वेगळी आसा. पुण हे सगळे कवितेचें समान लक्षण हें कि उज्यांतल्यान फुल्ल्या, स्वातंत्र्ययज्ञांतल्यान प्रगट जाल्या. राजकी स्वातंत्र्य, आस्पती स्वातंत्र्य, सामाजिक स्वातंत्र्य आनी आत्मिक स्वातंत्र्य हांचो तिका उपनत ध्यास आसा. ते दृष्टीन ती याज्ञसेनी. देखूनच ती आपणाल्या निजी सौंदर्याबरोबरच तेजा-ओजाचीं कंवचकुंडलां घेवन अवतीर्ण जाल्या. उस्फूर्ताय, सुभग्नाय नवाय आनी धारकाय ह्या गुणांनी ही कविता सैमाच्या आनी जिणेच्या सौंदर्याचो वेध कसो कसो घेता आनी तांतल्यान सैमाचें ऋतुनाट्य, मनशाचें मनोनाट्य, जिणेचें संग्रामनाट्य आनी प्रीतीचें संगमनाट्य उतरांचे लयींत वा छंदांत कशें कशें मूर्तिमंत करता हें तेकून काव्याचे 'महत्वय' सुलावतले असो म्हाका भरवंसो आसा.

साहित्य अकादमीन आयचे कोंकणी कवितेचें अलंकार पंजावन 'हो भांगरकरंड' तयार करपाची म्हाका ही संद दिल्याबद्दल हांव निजो उपकारीक आसां आनी हें काम तडीक व्हरूंक ज्या कवींची कविता म्हाका पावली तांका हांव मनापसून संतोषाचीं परबीं दितां.

बाकीबाब बोरकार

# अनुक्रमणिका


| | | |
|---|---|---|
| १. | शणै गोंयबाब | १ |
| २. | बयाभाव | २ |
| ३. | बाकीबाब बोरकार | ३ |
| ४. | गुंड्ड सी. आमोणकार | १३ |
| ५. | मनोहरराय सरदेसाय | १५ |
| ६. | रघुनाथ विष्णू पंडित | ३२ |
| ७. | लक्ष्मणराव सरदेसाय | ५७ |
| ८. | पांडुरंग भांगी | ६३ |
| ९. | गजानन रायकार | ७० |
| १०. | शंकर परुळकार | ७५ |
| ११. | जेस फर्नांदिश | ७८ |
| १२. | विजया सरमळकार | ८० |
| १३. | शंकर भांडारी | ८५ |
| १४. | माधव बोरकार | ९० |
| १५. | हिरालाल कामत | ९५ |
| १६. | अरविंद ना. म्हांबरो | ९६ |
| १७. | पुंडलीक नारायण नायक | १०१ |
| १८. | ना. फ्रा. द कोस्ता | १०९ |
| १९. | रमेश वेळुस्कार | ११३ |
| २०. | अभिजित | १२१ |
| २१. | अशोक काणेकार | १२३ |
| २२. | ओलिव्हिन गोमीश | १२४ |
| २३. | प्रकाश थळी | १२५ |
| २४. | सुरेश रामचंद्र पै | १२६ |
| २५. | तुकाराम शेट | १२७ |
| २६. | विमल प्रभुदेसाई | १२८ |
| २७. | गजानन जोग | १२९ |
| २८. | सुरेश जयवंत बोरकार | १३० |
| २९. | मानुयेल सी. रोद्रिगिश | १३१ |
| ३०. | पुरुषोत्तम सिंगबाळ | १३२ |

| | | |
|---|---|---|
| ३१. | ॲन्थनी कुरय्य पियेणकार | १३३ |
| ३२. | लुविस इनास मस्करेण | १३४ |
| ३३. | आंब्रोज द सौज | १३५ |
| ३४. | व्ही. द. सौज | १३६ |
| ३५. | शंकर रामाणी | १३७ |
| ३६. | भिकाजी घाणेकार | १४१ |
| ३७. | चंद्रकांत पार्सेकार | १४२ |
| ३८. | भिकू बोमी नायक | १४३ |
| ३९. | तेनसिंग रुद्रीगिश | १४४ |
| ४०. | नागेश करमली | १४६ |
| ४१. | एन्. शिवदास | १५३ |
| ४२. | ग. क. तळवडकार | १५६ |
| ४३. | उदय भेंब्रो | १५९ |
| ४४. | युसूफ अ. शेख | १६१ |
| ४५. | प्रकाश पाडगांवकार | १६३ |
| ४६. | माधवी सरदेसाय | १६७ |
| ४७. | सुहास दलाल | १६९ |
| ४८. | दिलीप बोरकार | १७२ |

## म्हजें गोंय

गोड म्हजें गोंय ! सुंदर म्हजें गोंय !
पुर्विल्ले नामनेचें, चड मोल्या भाग्याचें,
उंच माथें कोंकणाचें,
हें म्हजें गोंय !

निजाचे अर्पुबायेचें, इंद्रनीळ मळबाचें,
भांगराच्या ओताचें, रुप्याच्या चांदन्याचें,
हें म्हजें गोंय !

पथीक उदका–वाऱ्याचें, चकचयाळ पिकावळींचें,
सोबीत फुलां–फळांचें, शिट्टूक सावदां–सवण्यांचें,
हें म्हजें गोंय !

उजळ संस्कृतायेचें, खरेल्या कुळवंतांचें
उदार मनाच्या लोकांचें, पाटांगड्या विद्वानांचें
बळिष्ट झुजाऱ्यांचें, बुदवंत राजकर्ण्यांचें,
वावराड्या कामवटांचें, कर्तुत्वी मनशांचें
हें म्हजें गोंय !

धर्तरेवेलो सर्ग, हें म्हजें गोंय !
सासणाचें सुख–दिवें, हें म्हजें गोंय !

■

## अपेक्षणी

वाट पळैतां, दुखां गळैतां, दोळे गेले सुजून !
आतां येत, मागीर येत
म्हणुन बसून काडली रात
दिवलेंतली पांचवि वात — गेली पळै जळून !

फांत्या–पारा बेगिन उटुन
मोगरेचे कळे खुंटुन
सोबित हार काडलो गुथुन — गेलो पळै सुकून !

वाऱ्यान दिसता वाजलें दार
म्हणून गेलें घेवन हार
पारव्यांचें जोडें मुखार — जीव गेलो सुकून !

आतां धीर धरूं नजो
एक ध्यास्त लागलो तुजो
सांबाळ ! तोल सुटलो म्हजो — धर आतां जिखून !

■

बाकीबाब बोरकार

## नवें युग

सात लाख गोंयकार आमी युग नवें फुलैतले
अंदल्यात मंत्र जिवीं ते फाल्यां उलैतले
जळत गोंय धुंवता जरी
घरार नांगर भोंघता जरी
थैंच पाट अमृताचे फाल्यां आमी खेळैतले

आज जरी काळोख बिण्ण
सगलेकडेन पडलां किण्ण
दनपारांच्या कडार फाल्यां रथ भुजांर झेलैतले

आज जीव लागला गोळा
तरिय दैत्य लावन दाळा
रैताच्या जैताचो शेक फाल्यां चलैतले

झोमुन घेवंक वैली धुडी
होमखणांत आमची उडी
माणुसकीचे फायचे जिणेन देवांकय भाळैतले

ही धुडी केळैतले
सुखान दुंखां गळैतले
जनगणमन गीत गायत सूर नवो मेळैतले.

## स्वातंत्र्य न्हय, स्वातंत्र्य न्हय

प्राणाक क्षय, बुद्धीक भंय, फाल्यांक जंय कालचीच वंय
आयलां थंय स्वातंत्र्य तें स्वातंत्र्य न्हय स्वातंत्र्य न्हय.

जे घरांचे खणपि वाते
तेच जंय सन्मान्य दाते
धर्मार्थ जंय दारांत तांच्या सज्जनांचीय लागता लय
वाटमारे चोर खुनये
जंय प्रजेचे मुख्य थेलये
सत्ताय जंय तांच्या भयान मारता मिठा नीती नि लेय
पाडसावैले कुंवाळे
काल धवशे आज सांवळे
जंय सदा खुबळावन भौसा व्होतां खातिर घालती शबय
घाण स्वार्था जंयचे बरपी
वाचतल्यांचे त्राण चिरपी
दिवंक जळ लटक्या अधर्मा काट्टी उजळ उतरां–कलय
पेज सामको भौस जंयचो
फोवसो कोणेय कांडचो
पेट्टल्यांचे पांय चाट्टा, पिडटल्यांचो गायता जय
आप जंयच्या सगलें भष्टें
वंद्य परक्यांलेंच उष्टें
हुटकेती तांचे भितोडे मेळटा ती उखळंक तळय
पोट ही जंय एक निष्ठा
त्याग कष्टांची कुचेष्टा
जीव आसल्यार खावं भिकेनें होच जंयचो दिग्विजय
आयलां थंय स्वातंत्र्य तें स्वातंत्र्य न्हय, स्वातंत्र्य न्हय.

## जागी जाल्या गोंयची सासाय

जागी जाल्या गोंयची सासाय
येतलो भार येतलो भार
धोल ताशे बडय बडय
मार शेंसार मार शेंसार ॥ १ ॥

आसूं कोणूय तरंग घेवन
सकाळ पसून दिग्ग उब्रो

न्हावन धुवन सवळें न्हेसून
गंदाचो लावन तिवो
कळणा कशें उपरासून
खंयचे वाटेन येत ल्हार
धोल ताशे वडय वडय
मार शेंसार, मार शेंसार ॥ २ ॥

नांवान व्हडलो म्हाल देसाय
गांवान केला जरी मुखार
सासाय आंगांत आयले बगर
तरंग तोलीत कोण खांदार!
कोणाचेर येवंचो भार
हुस्को नाका, धर रे थार
धोल ताशे वडय वडय
मार शेंसार, मार शेंसार ॥ ३ ॥

नेम ना रे केन्ना कोण
कुदत कसो जावन वळी
घाडी, भगत, गुरव, गोंसाय
देवळी, थवय, मेस्त, मुळी
गांयची सासाय भेटत जाका
ताजेर भार, ताजेर भार
धोल ताशे वडय वडय
मार शेंसार, मार शेंसार ॥ ४ ॥

मनान पसून जे न्हाल्यात
उपासांनी बांदून पोट
वर्सासंकीं मोनेच मोने
आपल्या हातान शिंवन ओंठ
तांचे वेग, तांचे जाळ
येतली आतां तांकां धार
धोल ताशे वडय वढय
मार शेंसार, मार शेंसार ॥ ५ ॥

तातलो एक मस्तो हटी
झोमुन तरंग घेतलो धांव
माळुण जावन फाट्यां ताज्या
ओडत वतलो सगलो गांव
आसत गावडो, आसत सुदीर
आसत कुळंबी, आसत म्हार
भार येतर तोच देव
मार शेंसार, मार शेंसार ॥ ६ ॥

खुबलो तसो बेतकाटेक
तो कसोच रावचो ना
पुरतो झाडो घेतल्याबगर
त्रिशुत कोणा लावचो ना
पातकांचें भरुंक माप
उस्तितलो सगळि वार
उकऱ्यो जातल्यो फटाफटी
मार शेंसार, मार शेंसार ॥ ७ ॥

सत्य आतां आठय दिको
जोगुल जावन पेट्टलें
आनीक लटिक सगळ्या आंगार
खोरोज जावन फुट्टलें
घरचिं पिशीं, भायलिं भुतां
खिणांत जातलिं थंडगार
भार तीर्थ शिवरतलो
मार शेंसार, मार शेंसार ॥ ८ ॥

कोण जाणा केन्ना कशी
जाळि कोळ्र तुजिच कूड
अकस्मात घेवन पेट
उजवाडाची जायत चूड
जागी जाल्या गोंयची सासाय.
तुजेर लेगित येत भार
जावं कितेंय, जावं कशेंय
मार शेंसार, मार शेंसार ॥ ९ ॥

## पांयजणां

त्या दिसा चडाकडेन गडद तिनसनां
मंद मंद वाजत आयलि तुजि गो पांयजणां
मौन पडलें सगल्या राना
शिरशिरून थांबलि पानां
कंवळि जाग आयलि तणा झेमतां झेमतना
पैसुल्यान वाजलि घांट
दाटलो न्हंयचो कंठ कांठ
सांवळ्यांनी घमघमाट सुटलो त्या खिणा
फुलल्यो वैर चंद्रजोती
रंध्रांनी लागल्यो वाती
नवलांचीं जावंक लागलिं शकुन लक्षणां
गळयां सुखां, दोळयां दुखां
लकलकलीं जावन थिकां
नकळटना एक जालीं आमि दोगांय जाणां
वडफळांच्या अक्षदांत
कितलो वेळ न्हायत न्हायत
हुपले कितले चंद्रलोक, इंद्रनंदनां
तांतलें कांय नुल्लें आज
सगले जिणे आयल्या सांज
तरीय अकस्मात तुजीं वाजति पांयजणां
कानसुलांनीं भोंवति भोंवर
आंगार दाट फुलता चंवर
पट्टि केन्ना सपनां तींच घट्टि जाग्रणां

## निळें सवणें

निळें निळें सवणें एक
सकाळच्या गो पारा

भांगराचीं धुंगरां बांदुन
आयलें म्हज्या दारा
सवणें गायत आयलें तशें
झाडा पेडा लागलें पिशें
कोमऱ्यो आंकऱ्यो फुटुन म्हजें
पोरसुं आयलें चंवरा
निळें निळें सवणें एक
आयलें म्हज्या दारा

म्हांवान भल्ले फुलां-गले
हरयाळेक फुटले दोळे
अकस्मात अम्रुताचें
गीत सुचलें भोंवरा
निळें निळें सवणें एक
आयलें म्हज्या दारा

सवणं जिवा भिडुन गेलें
हांवय जालें गाड निळें
दिष्टाव्यान भेटलें हांव
म्हज्या राजकुंवरा
निळें निळें सवणं एक
आयलें म्हज्या दारा

## त्या विलाथे

त्या विलाथे मोरांच मोरां आंगा पांगा दोळे
उल्यार उले आयकुन तांचे मेघ जाती ओले
जांभळे जांभळे जाती दोंगर, निळशो पांचव्यो घळी
उन्हाळाची काडुन चोळी वाऱ्यार धोलता तळी

त्या विलाथे भांगरसाळी कुंकुमसाळी शेतां
भांगर कुंकुम शिंपित येती सकाळ सांजचीं ओतां
कुळार करावे चलयांवरी मेखळ्यो हांगऱ्यो झरी
फुलांर भोंवर फळांर सवणीं गायति किन्नरांवरी

त्या विलाथे कापरा-वेळो, फेणाल ल्हारांर ल्हारां
सांजच्या पारा भरून भार माड घुमति कांतरां
पैसुल्यान वाजुन घांट फुलता आंगार कांटो
दर्याचेर परजळटा चंद्रिमाचो पाटो

ह्या विलाथे यो गो वेंच सांवळयांतलीं पोवनां
सुंर्गावरी कंवळि म्हजीं परमळीत कवनां

## गुरू शिटकायता

गुरू शिटकायता कुरवांनी । आरे गुरू —
मेरेर झेमलो शेतोड ताजी
अचळय भकली गोरवांनी
भरताडेचीं तारवां चात्रा
समूळ नाडलीं तडवांनी
पेंवतां घाळ्ळे, हांयसां भाळ्ळे,
जितेच व्हेले गरयांनी
प्रसाद पाकळी फटवण सगळी
देव लिपयला गुरवांनी
कस्तुर मेरवावरी किल्या तूं
व्हगडायता जीव चळयांनी.

## व्हडें आलतडिं लाय

व्हडें आल्तडिं लाय । म्हाका पल्तडिं पाय
जंय सुख थंडाय । पांडुरंगा
कांय चांदचेलें ना । काय घेवचेलें ना
जग साय न साय । पांडुरंगा
हांगा कांय खरें न्हय । मनाभोंवतणि वेंय
सुखदुःख पिसाय । पांडुरंगा
गुंडे पद्दना जावं । फुलां झड्ना जावं
तुजि फळ्ळि सासाय । पांडुरंगा

ओत मोव जालां । दळभार फुलां
सांवळ्यांत निळाय । पांडुरंगा
तुजेवीण म्हाका । आतां कांयच नाका
जा तूंच थाकाय । पांडुरंगा
जड न्हय रे म्हजें । तुका जावंचें वजें
शरिरय ल़्हव ल्हाय । पांडुरंगा

## घुंगरां

कमळाचे कळे
तशे तुजे दोळे
पळेतना जाये
सांबाळुन पळे

*

काळी ! – कोणे तुका म्हळी ?
तूं तर म्हजी चान्याची तळी !

*

जायांचो वळसर मोगऱ्यांची पटी
नुलयत गेलीं काळखांत भेटी
पोटांतलें सगळें आयलें ओंठांत
माथ्यांतलें चान्नें चांदीच्या ताटांत

*

पावसांतल्या ओतांत
पानावेले थेंब
तशी म्हजीं दुखां
सुखान झिगझिगतात

*

पावसांत म्हाका घर जाय
गिमांत दर्या कांठ जाय
शियांत मात वांयगणांतली
बांदावेली वाट जाय

*

बेबे गायतात खर्जांत
कोगळां गायतात पंचमांत

तशें म्हजें मन गायता
पावसांत आनी गिमांत

*

प्राक्तन घालता उलो
केन्ना लायता तिळो
जाल्यार केन्ना मारता खिळो

*

सुदर्शनाच्यार गिता
रणांत कोण आयकून घेता !

*

वायल लायता रूज
वावराडेशीं हितगूज

*

खाल्लें अन्न निवेद्य
पियेल्लें उदक तीर्थ
अशें मन जालें जाल्यार
अयिल्लो दीस तीथ

*

सगळी गिता वाचून
इतलोच काडलो निष्कर्ष
देवान करुंक सांगलां
दायज्यांचो निर्वंश

*

शेतकार वळी आसलो जाल्यार
तुमकां आमकां गोटो
त्राण ताजें तुटलें जाल्यार
सगळो पावस खोटो

*

ल्हान जरी काजुलो
उजवाडाचो पिलो
त्रिण पसून काळोख
खिण भर निळो

परमार्थ एकल्याचो
प्रपंच दोगांचो
प्रवास तिगांचो

*

बापुय म्हण्टा, ' सगलि रात
पोरान न्हिदुंक दिलें ना '
आवय म्हण्टा, ' सगलि रात
बाय म्हजें न्हिदलें ना '

*

जिणेपल्तडचे किरण
ताकाच म्हण्टात मरण

■

गुंडू मी. आमोणकार

## शेतकार आमी

आमच्या गोंयचे शेतकार आमी
उत्रें वोरोस वावुरताले
धर्तरेचेर काम करून, सुखान जीवित घालयताले
पावस गीम आमकां लागोना,
भुकेन, तानेन आमी मोरोना
धर्तरेचे कुशींत आमी, जीव सदां खेळयताले — १

मीर्गाची वाट पळोवन दीस काडीले
तेच्च आशेर आमकां देवान पावसान न्हाणैले
घाल रे पावसा घाल रे पावसा, अमृताची धार
ह्याच्च रोवाक वयर काडूंक पुष्टी हे हुंवार — २

चला वेगीन चला वेगीन रोप वेगीन वयर सल्ले
पळौन आमचे जीव तांकां चड धादोशी रे जाले
हीच नडणी काडूंक हांकां, शिल्ले कशे ग्रासूंक तांकां
वेगीन वेगीन उदंभिजां ही सोरोप जशे उबे जाले — ३

लुवान लुवान काडून नडणी सू जाले जिवाक
आसोसाच्या मोख्या धारांनी तेजी हाडली तोखाक
भाताची कणशी कशी रूप दाखयता
हांसत्या मुखान व्हंकल कशी आमकां पळयता — ४

आजापाची देवाची करणी
भातां जालीं तांबशीं सुवर्णी
शेता मळार सगळे जावया स्वार
हिळयाक आमच्या भाल्यांची ही धार ५ —

कणशी माडवंया, मळणी चलवंया
भाताच्यो राशी वेगळ्यो काडुंया
कडणाच्या भारान, पोल गेलें वाऱ्यान
भाताच्यो राशी पडल्यो खळ्यांत -- ६

कष्टाची मिरास चलुन आयली घराक
देवान दिलेलो खातांव गिरास — ७

■

मनोहरराय सरदेसाय

## मदले आमी

कालच्यो रातीं, फायचे दीस
हांचे मदीं – मदले आमी

न्हय भाटकार, न्हय मुंडकार
न्हय घरकार, न्हय शेतकार
न्हय वासरेंत, न्हय रस्त्यार,
न्हय शागीर्द, न्हय स्वामी
असले आमी – मदले आमी.

आमकां नांगर धरूंक येना
आमकां माडार चडूंक येना
आमकां चुडीत मोडूंक येना
आमकां जळव फोडूंक येना
गेवंक येना, लुवंक येना
तार्सूंक येना कोंड्या कामी
असले आमी – मदले आमी

सोंपलें भात, सोंप्यार सूप
मोडलें दार, खिळयाक कुलूप
काण गेलें, उल्लां खीण
बायक फोल्ना, आमकां रीण
माचूल गेलें, मोटार ना
मानाय गेलो, शोफेर ना
रुमाल गेलो, चेवें ना
झल्लें जोतें, बूट ना
पिंजलें धोतर, सूट ना
पगा – धुलो फुटून गेल्यो

खेळूंक येना ब्रीज – रमी
असले आमी – मदले आमी

मनशयामुखार बागूंक येना
देवामुखार नाचूंक येना
न्हय देंवचार न्हय जल्मी
असले आमी - मदले आमी

हात मुखार करूंक येना
पांय कशेच चाटूंक येना
खोंट कोणाक हाणूंक येना
नावाडग्याच्या नशटेपणाक
करूंक येना नखशामी
असले आमी – मदले आमी

पासो मोखून शेणूंक येना
मोगा–उज्यांत जळूंक येना
रडूंक येना, रडोवंक येना
हांसूंक येना, हांसोवंक येना
मारूंक येना, मरूंक येना
शेळेंहून रगत जालां
जिरून गेल्या खुमखुमी
असले आमी – मदले आमी

८

## ही लोकशाय

पांडूलो पाडो
गोंदूल्या गाड्याक
काटूलो कोंडो
आन्तूच्या आड्याक
लाद्रूच्या शेतांत
पेद्रूची गाय
ही लोकशाय.

चंद्र्यालो चेडो
मर्त्याले माड पाडटा
रीतालो रेडो
व्हाजालीं वोंय मोडटा
तात्याच्या तपल्यांत
दादाची दांय
ही लोकशाय.

सगळें जालें तुजेंच राज
तुजो चांफो, तुजी काज
चंवरां गळय, पानां झडय
जाय तितलीं फुलां फाराय
ही लोकशाय.

वांकडो चंल, कसोय पळ
गाडी तुजी कशीय चलय
झाडार उडय
घरार चडय
ना जाल्यार मर्दीच थाराय
ही लोकशाय.

आयले काळे, गेले धवे
फाटलें वचून आयलें नवें

पेद्रूचो जालो पिटर
लिश्राचो जालो लिटर
सेवेंज वचून आयली बियर
ग्रावाद वचून आयलो टाय
ही लोकशाय.

रेक्रेमेंत वचून आतां
आयलें ॲप्लिकेशन
कोरुंप्सांव नाच जालें
आयलें Corruption
pela nacao चें नांवूच ना
आता सगलें 'For the
Nation'
'Adeus' गेलो,
सगले ताका
करया "Bye Bye"
ही लोकशाय.

मोडक्या खांब्यार नवो पूल
फुटक्या गुंड्यार नवी चूल
पोरण्या पाटार नवो मानाय
ही लोकशाय.

शेत रोयता ?
फॉर्म भर
भात विकता ?
फॉर्म भर
मीक मागता ?
फॉर्म भर
खंयचो तूं ! खंय रावता ?
खंय न्हिदता ? खंय जेवता ?
कोण तुजो आजो
कोण तुजो पणजो
कितली ताजी पिराय !
ही लोकशाय.

हें वरय, तें छाप
हें टायप तें टायप
टक टक, झर, झर,
कागदांचे जाले दोंगर
वझऱ्यांनीं ओत्ता शाय
ही लोकशाय.

अेक ऑफिसर धा कारकून
धा कारकून वीस चाकर
वीस चाकरांक तीस शिपाय
ही लोकशाय.

सेलाद फोळीर पिकता भात
तरीय लोक काडटात उपास
हें अशें जावंचें कशें ?
म्हाका बाबा कळना कांय
ही लोकशाय.

साकर ना ? बरें जालें
साकर खाल्यार गोडें जाता
तांदूळ ना ? बेस्स बरें
भातें माल्ल्यार सुस्ती येता
सगल्या परस जिवाक बरो
किरायत्याचो कोड्डू कसाय
ही लोकशाय.

कऱ्हाडचीं गाडवां
मडगांवच्या रस्त्यार
सरकारी खोजनो
फुलूच्या खुस्तार
खर्चाच्या खोर्णात
लोकांची ल्हाय
ही लोकशाय.

नळ आयले, उदक ना
दिवे आयले, विजूच ना

दांत आयले, चणेच ना
फुटलो लाटण
पुरली वांय
ही लोकशाय.

सगलें गिन्यान दवर कुशीक
हुनहुनीत गाळी शीक
"you bastard, dirty dog
मालक्रियाद, दितलों फोग !"
"साला,बदमाश कोण रे तो ?"
" तुजो पाय "
ही लोकशाय.

हड्डें फुलय, भुजां हालय
किदेंय उलय, मोस्यान उलय
आंवूळ मुठी, मेजां धोडाय
ही लोकशाय.

बारा बोटांक, बारा मतां
बारा हातार, बारा खतां
दोन बोंडे, दोन भाटकां
दोन वांजां, बोन कुस्कां
बाकी सगले उदकाशिवाय
ही लोकशाय.

हांसपी ओंट
रितीं बोडां
बंद कोट
उक्तीं तोंडां
आनी सदांच हात मुखार
' तुमची मतां आमकां जाय '
ही लोकशाय.

जाका धरूंक येना सत्री
तो जाता राखणमंत्री
जाणे जल्मांत चिरली ना शिरी
तो जाता शिक्षणमंत्री

जो चलयता कायद्याचें खात
तो फटकिऱ्यांचो पाय
ही लोकशाय.

वोगी ब्रसून मेळना कांय
वच रस्त्यार किंळची मार
धा जाणांक धरून हाड
सात–आंठ गाडयो मोडं
दुकानांच्यो कंवच्यो फोड
चारूय घरांक उजो लाय
ही लोकशाय.

लोकूच जंय पातशाय
ती लोकशाय.
सगल्यांनी काढचें दूद
सगल्यांनी हाडचो उंजो
सगल्यांनी मारची फूंक
थोड्यांनीच खावची साय
ही लोकशाय.

अर्दो वांटो सरकाराक
तिसरो वांटो मामलेदाराक
सवो वांटो भाटकाराक
कांडून, कांडून उल्लो कुंडो
तोच आतां तोंडाक लाय
ही लोकशाय.

कैद गेली आयली फांशी
आतां तरी जालो खोशी ?
आतां गळ्याक फांस लाय
फुक्या सवाय
ही लोकशाय.

वांदोडेचो दोवलो
शिरोडेची कायल
कोणाक जाय धुमको, चिमटो ?
हाय !
ही लोकशाय.

## अठरा जून

उदक लेगीत जाल्लें रगत
आनी रगत जाल्लें हून
भावा ! तुका याद आसा
अठरा जून ?

बंदखणीचे दुखी चिरे
नवे आशेन धडधडले
फिरंग्याले मस्तें बंदेर
थरथरत समजलें
वावझडींत वेतलें म्हणून
पिंजून, पिंजून...
भावा, तुका याद आसा
अठरा जून !

मंगळाराचो आसलो दीस
पावस नेटान झडटालो
आंब्या–मुळांत गावड्या पोर
कुडकुडत रडटालो
लोखणाचो आयलो पुरुस
कोणाक खबर खंय साकून
ताज्या शिंवा–उल्यान गेलीं
आमचीं भुजां शिवशिंवून
थोरां–पोरां आयलीं धांवत
कोणाक खबर खंय साकून
जुल्माच्या तुबकांतल्यान
उज्या–गुळे गेले सुटून
रगताची ऊब मेळून
भूंय आमची जाली हून
भावा, तुका याद आसा
अठरा जून !

सोडणुकीचो आयलो दीस
उठून उचो रावलो मनीस
सगले पास पडले तुटून
भावा, तुका याद आसा
अठरा जून ?

कितलें अशे आयले गेले
अठरा जून !

आंब्या-मुळांत कुडकुडटा
गावड्याचो पोर अजून
भांगराचें गोंय आमचें
कितलें आसा पयस अजून !
मळबाचो माटव मोडून
कुपां फोडून, गडगडून
जोगलाच्या झगझगांत
चिरस्स करून झगझगून
दडकेवरी लोटून, फुटून
येवंदी परतो अठरा जून !

त्या दिसा उगडासान
हडूं म्हजें पेट्टा अजून
भावा, तुका याद आसा
अठरा जून ?

## मेस्त आनी बरोवपी

कालूच म्हाका येतना घरा
दिसलो वाटेंत मेस्तुलो
सांवरे–दखार चसलेलो
आपले तोंचीन खुट् खुट्
खांयाक बुराक काडटालो
हांवें म्हळें: मेस्तमामा,
बेस्टो किल्याक करट घेता ?
तुजे तोंचीन दिसता तुका

सांवरे–रुखाक कापतलो ?
तोंच तुजी धाकटुली
सांवर आसा व्हड कितली
कितलो वावर करतलो ?
वोगीच पुता खशेंतलो.
मेस्तमामान तकली हालोवन
म्हाका म्हळें, 'सारकें पळे
हांव गा रुखाक कापीन कसो ?
शक्त म्हजी कितली ल्हान
हांव गा असो रुखा खांद्यार
म्हजे तांचीक काडटां धार '

तोच मेस्त धाकटुलो
म्हज्या घरार येवन बसलो
सदां भाशेन हांव असोच
किदेंय तरी बरयतालों
मेस्तमामान म्हळें म्हाका
' बेश्टो कित्याक कश्ट घेता ?
बरोवन बरोवन दिसता तुका
सगलीं पानां भरतलो ?
सगल्या लोकांक गिन्यान सांगून
तांकां शाणे करतलो ?
लिखणी तुजी कितली ल्हान
वावर आसा चड व्हडलो
वोगीच पुता खशेंतलो ! '
हांसहांसत हांवें म्हळें:
' मेस्तमामा, सारकें पळे
पिंशपणा–रुखाक असो
अेकटो मनीस कापीत कसो ?
शक्त म्हजी कितली ल्हान
लिखणी म्हजी धाकटुली
हांव असोच पाना–पानार
म्हज्या मनाक काडटां धार. '

## सुये - बाये

धर्तरेच्या कुसव्यांतलं
लोखणाचें कूळ तुजें
कापशिणीच्या पुता लागीं
सूत तुजें जमलें कशें ?
शिडशिडीत दोरा-पोराक
नाख तुजें मानलें कशें ?
कशेंय जावं, किदेंय जावं
घरची म्हज्या सून तूं
गुण तुजे गांवचे कशे ?
शिंव, शिंव, शिंव सुये
शिंव, शिंव, शिंव
शिया पसून, वोता पसून
सांबाळ आमचो जीव.

लिकलिकीत, लिकलिकीत
अुजवाडाची नार कशी
लुगटाच्या झुजा मळार
तरसादेची धार कशी
राजाची जावं राणी
कुणब्याची जावं पत्नी
सगल्यांचा अिस्टिण तूं
घरा-घरांत जायशी अशी
उगडो घालून आपलो जीव
हेरां खातीर न्हेसणां शिंव
शिंव, शिंव, शिंव सुये
शिंव, शिंव, शिंव.
शिया पसून, वोता पसून
सांबाळ आमचो जीव.

पाळण्यांतल्यांक तोपरीं कर
चलतल्यांक आंगलीं कर
चलयांच्या मस्तेपणाक
चोळयाची बिल्लीं कर
तुळतुळीत तकल्यां खातीर
धव्यो, काळयो तोपयो कर
घरा नव्यो वस्ती हाड्ंक
घटयो चन्यो पोतयो कर
गरिबांच्या सुकऱ्या आंगाक
पोटलावपी गोंजडी कर
शिंव, शिंव, शिंव सुये
शिंव, शिंव, शिंव
शियां पसून, वोता पसून
सांबाळ आमचो जीव.

वांटकुळयाच आटयेंतल्या
लुगटाचे माचयेचेर
नाच गे बाय, नाच गे बाय
पांया खाला येवंदी रुपाक
अपुपाची आकृताय
जादवाचे काडये गे
घरां, गोठे, देवळां कर
फुलां, पानां, फळां कर
रस्नाच्या ताळयांचेर
विलुदांचीं सवणीं कर
सुपुल्याच्या म्हज्या धगांत
सैमाची सुरुट कर
तांबड्या, निळ्या पांचव्या चार
तरेकतरा कपयांचो
कर अकचार
शिंव, शिंव, शिंव सुये
शिंव, शिंव, शिंव
शियांपसून, वोता पसून
सांबाळ आमचो जीव.

जायते हांगा पिंजपी आसात
जायते हांगा चिरपी आसात
जें चिरता, जें पिंजता
तूंच ताका जोडपी आसा
कातरेच्या कर्तुपाक
तूंच खरी मेटपी आसा
नल्यो आमी मस्त्यो करून
खुशालकाये तिरूयो केल्यो
अग्नि–देगे पुडवीं कापून
वेंता–येद्यो काश्यो केल्यो
आयज बुतांव गेल्यात फुटून
पोरणी शिंवण आयल्या सुटून
विस्कटून पडल्या पोंड
अपुर्बाये सुये–बाये
घेवन माये–दोर
नवे, धवे, धागे मारून
आमकां जोड, आमकां जोड.

## जिणेन म्हाका सगळें दिलें

हांवें किदेंच मागल्या बगर
जिणेन म्हाका सगळें दिलें.

खोंप दिली रांदन दिली
रांदनीचेर तपलें दिलें
भांगरा वरी पितळे भितर
मोतयां वरी शीत दिलें.

आंब्या–रुखा सांवळि दिली
चुडटांचें वारें दिलें
मळबा वरी निळ्या तळयांत
साळकांचें रूप दिलें

मोगाळ, पिकाळ माती दिली
गांवा येदें भाट दिलें

घरा भितर, पोरसा भितर
पोरां फळां पीक दिलें

वाव दिलो, वादळ दिलें
लख्ख विजे–हांशें दिलें
दोंगरां येद्या ल्हारां मधीं
दिव्या–घरा मन दिलें

गुलाब दिले, कांट दिले
कांटे सोंसपी काळीज दिलें
उमाशेच्या दोळयांत म्हज्या
पुनवेचें सपन दिलें.

हांवें किदेच्च मागल्या बगर
जिणेन म्हाका सगळें दिलें
कोलवाचे खोंपींत म्हजे
विस्वाचें धन दिलें

## माडी म्हजी भयण

माडी म्हजी भयण
माड म्हजो भाव
भावभयणी गांयांत म्हज्या
हांगा अेकटो हांव.

पयस गांव पयस मोग
दुकां मेजीत काडटां दीस
वोवळां बगर, मोगऱ्यां बगर
जिणेंत म्हजे भल्लें वीख.

केळ म्हजी भयण
आंबो म्हजो भाव
भावभयणी गांयांत म्हज्या
हांगा अेकटो हांव.

चींच ना पिंपळ ना
वडा मोगाळ सांवळ ना

कुळागरा-माये बगर
तान म्हजी पालवना.

तांब्डे मातये बगर म्हजें
रगत लेगीत जालें काळें
पांचव्यांचार मळां बगर
काळजांत म्हज्या तापले सूं

माडी म्हजी भयण
माड म्हजो भाव
भावभयणी गांयांत म्हज्या
हांगा अेकटो हांव.

## जायो-जुयो

एक एक माड मेळून
भाट जाता
एक एक पावल जुळून
वाट जाता.

*

तूं आसतना--जिवीत
तूं नासतना-कवीत
आज म्हजें सगलें जिवीत
कवीत जालां.

*

सान वेंगेंत
आंवळूं कशी
संवसाराची सुंदराय ?
मळब्रायेदे हात जाय
नेण्टे मतीन
समजूं कशी
विस्वाची अप्रुपाय ?
सूर्याभाशेन नदर जाय.

*

जंय पावल ना
थंय वाट कित्याक ?
जंय वावर ना
थंय हात कित्याक ?
जंय अन्न ना
थंय ताट कित्याक ?
जंय मोग ना
थंय रात कित्याक ?

*

— पाख्या, पाख्या वात ही
करतली तुजो घात
— उजवाडान भरतली
म्हजी रात

*

दुकां गळोवन
तळें जाता
तांतूंत मळब
रूप चोयता.

*

सोय बरी वांटचे आदीं
रोस पिळून काडचो न्हय
भितर उतर शिजचें आदीं
गीत पानार वाडचें न्हय

*

जिविता पासत
दुड्डू जोडले
दुडवापासत
जिवीत मोडलें

*

सपनांत तिजो घेवन उमो
खुशालकायेंत बुडलों हांव
एकच मात येंत मनाक
विचाल्लें ना
तिजें नांव

*

फुलान कितेंय मागचें जाल्यार
परमळून मागचें
फळान कितेंय दिवचें जाल्यार
हड्डुं पिकून दिवचें
मनान कितेंय सांगचें जाल्यार
मोगान जळून सांगचें

*

अशेंच करीत आयले:
फातरांच्या देवांक
रगतान न्हाणयले
रगताच्या मनशांक
फातरान धाडायले

*

कवीत म्हळ्यार दिश्ट एक
दिश्टींतल्यान सृश्ट जाता
कवीत म्हळ्यार सपन एक
सपनांतल्यान सर्ग येता

*

भयान सांगलें: धांव
आशेन सांगलें: राव

*

सवणं म्हजें
भांगरा-तांचीन
आयलां घेवन
उतरांच्यो काडयो
तुमच्या मनांत
घोंटेर करूंक

*

सुक्या सड्यार
उदक मेळ्ळें
मर्णा घडेर
जिवीत कळ्ळें

■

रघुनाथ विष्णू पंडित

## आयज तूं येतलो देखून

आयज तूं
येतलो देखून
व्यांयचेर कावळो
रडून गेला
आंगणांतुल्या
पार्दिकान
फुलां शिंवरून
शितोडो केला.

आयज तूं
येतलो देखून...
पोरसां चांफ्यार
फुलांच फुलां
मागदेरिंच्या
केळीमाध्यालें
घडालें पिकून
भांगर जालां.

आयज तूं
येतलो देखून...
माजर बसलां
हुमरो राखीत
गोठ्यां म्हसरां
हांबे हांबे
भुरकटून
नाचता लापीट.

आयज तूं
येतलो देखून....
झिरच्या पानां
रंगला इडो
जीव माजेलो
सैर भंर...
पाळण्यां सारको
रडटा चेडो.

आयज तूं
येतलो देखून...
खोप्यां आबोलीं
मुरगट्टात
नेया खगाची
चोळी माजेली
आंगाक सामकी
तटतट्टा !

आयज तूं...
येतलो देखून !
आयज तूं
येतलो देखून ! !

## दर ना देखून उल्लां

हांव भाटकार !
म्हजें रेंद
म्हाका पावना.
कोंयूच केल्यार
अेक पैसो
हाताक म्हणून
गावना.

जानेराच्या पाड्याचे
नाल्ल विकले...
भाटाक
वावर केलो.
आब्रिलांत
मीठ विकलें...
देमांदाची
कुस्तां भलीं...
मेतंब्रांत
भात विकलें...
प्रेदियाल भल्लें.

देझेंब्रांत
शेळो, सोण्णां
सुपारी, सोलां
आशिल्लें, नाशिल्लें
सगलें विकलें...
मोर्ती काडल्यो.

नातालाच्यो,
नव्या वर्साच्यो.
लाग्राचो प्रेम
कोणाक फुटलो
कोण जाणा...
म्हज्या मोर्तीचे
वागय रुपया
जाले ना.

आतां,
म्हजें म्हाकाच
हांव
विकपाचो आसां.
दर ना
देव्नून उल्लां !

## उरतलें तें रूप धरतलें

चंवर झडटा ?...
भियेवं नाका !
इल्लें झडटलें...
इल्लें उरतलें...
उरतलें तें
रूप धरतलें
रंग घेतलें
आनी पिकतलें !

## सायव्रिणी

सगळी रात तुजे कुटीं
दिवल्ली झेमता. चाये,
दिवल्ली झेमता.
वंटीवेलयान
हिणयां तिणयां
सावळी वेंळोता;
तुजी, सावळी नाचोता.

हांव हिणयां,
घुममटत,
काळग्यां फुगार
तुंजे पासन...
तंय म्हजे सायव्रिणी,
कित्या जागोता...
चाये, कित्या नागवला ?

## कोणाक कांय नाका

तूं कुंडो दिता
तूं म्हाका जाय.
हांव उंडो दितां
हांव तुका जाय.
तूं कणी दिता
तूं म्हाका जाय.
हांव लोणी दितां
हांव तुका जाय.
ना जाल्यार...

बांयक राट नाका
राटाक राजू नाका
गजबाक कळशी नाका
कळशेक उदक नाका.
उदकाक तळ नाका
तळाक ठाय नाका.
कोणाक कोण नाका
कोणाक कांय नाका.

## दर्या सुंदरी

नदरेंतुल्या पागरानु
पागिनां मासोळी...
मायझ्या भुल्लोयन मासोळी
पोवळ्यांच्या कंवळ्या वांटार
नाचोयत पिसोळीं
मायझ्या हांसोयत पिसोळीं
होडझ्यावेल्या वांटरां धोलोयत

पारव्यां जोडी
मोगा पारव्यां जोडी...
ल्हारा ल्हारा फुसलायतां
भामुरेचेरी...
सायबा, दोर्या देंगेरी
देखिली अेकु, सोपनांतुली
सोपोन – सुंदोरी
सायबा, चोंद्रिमापोरी...
भांग पाणयां व्होडें मुगेलें
मोडोयन नांगोरी
सायबा, आसलोलें नोडी
चोलये चोयतां नांगोर तोडुनु
हुबलें वोसाडी...
सायबा, भायलें वोसाडी !
वादळात्रिणं वाऱ्यायविणें
पावलें पोलतोडी...
सामकें, धारेय पोलतोडी !!

## हांव तुळशीचें पान गे...

हांव तुळशीचें
पान गे
हांव तुळशीचें
पान

मोग म्हजो
देवा येदो
जीव जगा
सान गे
हांव तुळशीचें
पान...

केंसर कृष्णा
पांयार पडचें

हातें फाटीं
हात जोडचे
रात – दीस
ध्यास घेवन
परमळो
प्राण गे
हांव तुळशीचें
पान

हांव तुळशीचें
पान गे...
हांव तुळशीचें
पान.

## हांव राजा...

हांव पिट्टोळ
उडणां मार्गां
निरुत्याचो राजा
त्या ××× भाटकाराच्या तळयांत
म्हजें राज्य चलना
देवां मदीं इंद्र
नक्षत्रां मदीं चंद्र
भुतां मदीं देवचार
भाटकारां मदीं ×××
तशो निरुत्या मदीं हांव
पिट्टोळ
निरुत्याचो राजा
त्या ××× भाटकाराच्या तळयांत
म्हजें
राज्य आसा.
केंदळा मदीं
करंगुट, पानें
कुड्यां मदीं

थोटेच शाणे
गावड्यां मदीं...
मनीस वाण
भाटकार शाण...
शाणे...
आनी बुदवंत
बुदवंत
आनी व्हड
व्हड
आनी चड पदवेचे.
तसो हांव
पिट्टोळ
त्या
××× भाटकाराच्या
तळयांत
म्हजें राज्य
चलता.
बेबक्यां मदीं
हेंवाळें व्हड
हेंवाळयां मदीं
दिवड, जड;
खर्वा मदीं
खर्चाणी गोड
तसो
मुंगटां मदीं
सांगटां मदीं हांव
रुचूय ना जाल्यार
खावपाक
बरों वातड
निस्त्याचो राजा
त्या
××× भाटकाराच्या भाटांत
म्हजें
तळें आसा.

तळयांत उदक अडेचें
चांदांचे
आढांगायेन भाडायिल्लें.
तळयाक
निजाचो झगो ना
दर्याक वेंगावंक
मानस ना
ल्हानसो
पोडसो ना
आगराचो
उमाळो ना.
दर्याक
भरती येता
सुकती येता
तशी
खळयेकूय
ती येता
आनी वेता
भायलें भायर
पयस पयस
पुण
तळयाक
कांय लागना.
आगरांत
घोळश्यो येनात
गंवटें येतात
आनी
वेतात
व्हड व्हड
सुवावाचे गोड गोड
तळयाक
भायलें खळयेची
ओढ ना
त्या खातीर

शेंवल्याक
तळयाची
ओड ना.
तो तळयांत
येना
आयल्यार
थारना
थाल्ल्यार उरना.
उदक सारें
मिस्तुराद
पचपचीत.
खार म्हळयार
खारसाण ना
गोड म्हळयार
गोडसाण ना..
मनशाच्यान
पियेवं नज
शेंवल्याच्यान
जियेवं नज
शेंवटीं
तळयांत रिगना,
तोंवर
हांव राजा
पिट्टोळ
तळयांतल्या
बुराट्यां मर्वी
खर्वी मर्दी
हांव
उडणां मारतां
त्या
××× भाटकाराच्या तळयांत
म्हजें राज्य
चोलता.
××× भाटकाराचें

भाट व्हड
माडाक
सूर चड !
रंद
तीन माडांचें
कुंबळें
धा पटींचें
येरांम
मातशे नडीचें
देखून
भाट
फोराक म्हारग.
तरीकूय
भाटकाराची
पदवी व्हड.
म्हणून
भाटाच्या नाड्यार
××× भाटकार
भाटांत
उडणां मारता
भुणकाऱ्यांचीं
मोण्णां काड्टा
पिडापीड करता
तांकां भोंवच
धारेर धरना
दीस रात
किरमिता किरमिता.
आसडून पिसडून
फांपडून फांपडून
खाता खाना.
आनी हांव !
तळ्यांतल्या
निस्त्याचो राजा
थंय... तळ्यांत
धुमशेण घालतां.
सांगटांचे
कांटे मोडटां

मुगटाच्या नाग्वांत
दोगं मोडटां
ग्वर्वांक
मिमडायतां
खर्चाण्यांक
कुमां तोपतां
खरशेयतां.
××× भाटकार
जसो
गावड्यांचो राजा
गोव्हेर्नादोर
आनी प्रिजेंत !
तसो हांव
पिट्टोळ
निस्त्याचो राजा...
त्या
××× भाटकाराच्या तळयांत
बांदाचे आडांगायेन
आडायिल्लें...
त्याच्या उदकाचें
म्हजें राज्य...
वायंगणं शेत
रोंपच्या तेंपार
कांय दीस
चलता...
धोलता...
आनी निमाणें
व्हांवता !
हांव पिट्टोळ
निस्त्याचो राजा
त्यां
××× भाटकाराच्या
तळयांत
म्हजें
राज्य चलता.

## भाटकाराचो सत्यनारायण

देमू,
माळी झाड, माळे झाड
सालां झाड
कुडी झाड
दैरांव काड
कैर काड
सगळ्या जमनींक
शेण काड
वणटींक
चुनो काड.

फाल्यां
पुनव – दिसा
सत्यनारायणाची
पुजा आसा मरे ?

देमू,
दिवे पूस
पायणेलां पूस
जनेलांचे
बींद्र पूस
दिव्यांच्यो
चिमण्यो पूस
लामणदिवे
दिवल्यो पूस.
तेल घाल
वातो घाल
वल्तेरां पूस
कदेलां पूस
लोनां घाल

नमस्कणां घाल
कदेळां मांड.

देमू,
माडाचे
नाल्ल झडय
ते सोल.

देमू, पेज जेवंचे पयलीं
तुळशी काड
दुर्वा हाड
फुलां हाड
साळकां हाड.

पेज जेवतकूच
माळो कर
झेले गुंथ
तुरे कर.

देमू,
दोनपारां
भात उकड
लाटीर, फोव कांड.

देमू,
कोप – वशो धू
कोपां धू.

देमू,
जळव फोड
शेतकागाक आपय.
तिखशें फोव
चुंदी लाडू
वेसन लाडू
पिठया लाडू
चकऱ्यो, शंकरपाळयो

मयडेंच्या केळयांचो
हालवो
करून घे.
पणजेचे बामण
मुरगांवच्चे सोयरे
मसणांतले 'धायरे'
पुजेक येतले.

देमू, भटाक सांग
ताका विच्चार
पुजेचें साहित्य
मगलें
तयार दवर.
देमू,
रानपी सांग
शेंबर लोकांच्या
जेवणाचें सामान
तयार दवर.

देमू, गाडो बांद
पणजे वच...
हें हाड
तें हाड
हें व्हर
तें व्हर.
कापूर उजवाती
गोड दाळ...

आरतीक
लवंगी मारण
मरवाक
वायेरी फोली
चुरताक
मायलें पीट
नीद्र पुसपाचो
धबो पिठो...

पेत्रोलाचे डबे
तेलांचे डबे
तुपाचे डबे
पायसाक
वेलदोडे...
खिसमीस
मुगां – दाळ
चण्या – दाळ...

शिऱ्याक
सवाय मण लुरांव
सवाय मण साकर
सवाय मण तूप
दोणे...

मयडीं केळीं
लारांजां
तोरिंजां
पेरां हाड
देम् ,
शेटीक आपय
मखराक
कमळां कातरून घे.

देमू,
फुलकारांक
जायो, हार, तुरे सांग
दुदकारांक
चालीस शेर
दूद सांग
च्याच्चो पाल्लो हाड.
देम् ,
म्हारांक
फुलांचे पांटुले सांग.

देमृ ,
दांगरकाराक
माटवेचें सामान
सांग.

फुलां, पत्री सांग
भाज्जेक आळं
आंब्याचे ताळे
सूर्ण, कारांदे सांग, दुदी सांग.

देमृ ,
जिनकाराक
फळावळ, शित्यों सांग
जाम, फोफळांचो कात्रो
केळिचे नेमें सांग
लोणच्याक बिमलां,
उडद – मेथयेक
करमलां सांग
चांदकाराक
आडसगं, नाल्ल,
दुर्वा सांग
कुंवराचे कान सांग.

देमृ ,
पणजे वत्र
पिटेबाबाक
चिटेबाबाक
सांतूबाबाक
फटूबाबाक
गनाबोल्लीक
धोब्याक, पलंगाक
पेटेबाबाक, घिटेबाबाक
खोटेबाबाक, धोंड,
धांटकार, वर्दो,
कोलवाळकाराक

म्हारवाक आनी
देंवचाराक
सगल्यांक
पुजेक आपोवणें सांग.

देमू ,
गयचंदरा वच, हें सांग.
मोवळयां वच, तें सांग.
कुडका वच, हें कर
ताळगांवां वच, हें व्हर.
माशेलांत वच
भटाक आपय
खांडोळयां वच
पुजाऱ्याक आपय
भाणस्तारी वच
शुक्रागचो बाजार हाड
मुरगांवां वच
हाका आपय
म्हापशां वच
हरदास सांग.

देमू ,
हाका जेवणाक आपय
ताका पुराणाक आपय
ताका कथेक आपय.

देमू ,
मानशेकाराक
मुंगटां सांग
दोंगरकाराक मेंडे सांग
पुजे दुसऱ्या दिसा
सकाळीं पेजे बराबर
भाज्जेक.

देमू , दिवे पेटय
देमू , दोणे भर

दोण्यांचीं ताटां भर
देमू , नाल्ल फोड
पंचवाद्य कर.

देमू ,
रानच्या कडल्यान
मुगां – गांठी
उडद – मेथी
वडे, रायतीं
शाको करून घे.

देमू ,
आरतींक
शेरींक आपय

देमू ,
जेवणाक
शिरयो गांड.
देमू ,
गांवच्या लोकांक
दोणे वांट.

देमू ,
पानां व्हरूंक
महारळांक आपय
म्हाल्यांक आपय
नायकांक आपय
आनी म्हारांक आपय

देमू ,
चिटेचाव
पटेचाव
मोटेचाव
चेठेचाव
पणजे वच्चे आमात...
अेकल्या अेकल्याक
कालापुरा वचून

घोड्यांच्यो गाड्यो आपय.
देमू ,
हांगा धांव मार
थंय धांव मार
पळत गव.

देमू ,
सगलो लोक गेलो !
मोयरे गेले
धायरे गेले
दायजी गेले
दुस्मान गेले !
आतां
मखर काड
माळयार उडय
कदेलां, हारशे
दिवे, तांपां
चिमण्यो
जमखणां, लोडां
उशीं, शेंबऱ्यो
चादरां रुजू कर.

मुकटे, पाट, तोप, नपलीं
पंचपत्रां, तांब्ये
पडगे, पळयो
आरत्ती, झांजी
तबकड्यो
कोप - बश्यो
चमचे
सगलें सामान
रुजू कर
आनी आमलें तशें
सगलें
जंय वे थंय
सांबाळून

त्या त्या जाग्यार
माळ्यार
कुडींनी
दिस्ताक दिस्त
आशिलें तशें
दवर

देमृ,
भटांक
दक्षणा व्हरुंक आपय
हरदासाक
विडो व्हरुंक आपय.

देमृ,
सगल्या भटांच्यो
गणेस -- पुजांच्यो
भाज्जेच्यो
सगल्यो
बारीक मोट्यो पोटल्यो
तांणी अेकटांय
केल्यात त्यो
शापार
कार्गेरी मोटार्गी कडेन
व्हरुन पावय.
पावयल्यो मरें ?
देमृ, पुजा तुका
मानवली मरें ?
"व्हय भाटकारा !"

आरे,
पुण पावया
ह्या
सगल्या वोवाळांत
हांव
प्रसादाचो दांणो
दिवंक

तुकाच मरे
विसर्लों...

यो यो
असो यो
पापया
हांव विसर्लो
जाल्यार
तुंवें पुण
याद करचा न्हय ?

“ भाटकोरा,
अिचेय चोओळांत
माजेलें खुंयचें ! ”

शे शे...
तुगेलें खंयचें ?
पापया !
तुं म्हणून पुजा
तूं नासल्यार
पुजा जावपाची ?
घे घे... हे घे
तुका दोन दोणे व्हर
तुजो मान पयलीं मरे !
एक तुका
आनी दुसरो
तुजे धरकान्नीक
आनी मागीर
तिखशे फोव व्हरपाक
चेड्याक धाड
विसरूं नाका आं
“ चोरें भाटकोरा !

कवित्रां

## सपन

कोणालें काय
तें सपन
मळच्यां चवरलां ?
रंगरंगी इंद्राधनु
रंगा शिंवरला ।

*

## बावलीं

दोळ्यांतली बावली म्हज्या...
तुजे आशेर रावली !
तूं मात,
वाऱ्यार हुवून,
खैंचखंय पावली !!

*

## जिणें – व्हडें

अफाट वर्यार
जिणें – व्हडें
तरतां तरना
सुखा भांवतणचे दुखाकडें
सरतां मरना !

*

## सुख – दुख

सुख,
सांवरां कापसावरी
देखतां देखतां

हुबून गेलें...
दुख
काजी दील करी
गोम जावन
फाटी दसलें !

*

## मोगा--कळे

जींण वेलीर मोगाकळे
हांसत हांसत फुटले
हार गुंथले,
तांचे आज
धागेच सगले तुटले !

*

## म्हांवा-मूस

म्हांवा मूसा...
त्रिखां कुसां !

*

## मिणो वारो

धर्तरेच्या
मोगा लागून
पावस धांवलो
आधारा...
वारो मिणो
जोगलां वेंगें
सोसंता
मळबा घोटेरां !

*

## दिवो पणटी

देवाले
उज्वाडा दिवे

युगान युगां
पेटत आसा
म्हजे जीण
पंटीभर तेल
खिणा ग्विण।
आटत आसा।

*

## हुंवार

आमच्या मोगा
हुंवार येता ?
येवंदी
उपाट येवंदी...
बुडपाचे तर
दोगांय बुडया
हुंवार
धादोस जावंदी !

*

## भूल

तणावरी सुकचे पयलीं
फुलापरी फूल तरी...
जीण मोयपासां
हुपचे पयलीं
मोगा मातशी
भूल तरी !

*

## गीत

पानांतल्यान कुच्च करून
फुल वेलीर फुलता
तेंच भशेन
मना ताळयेर
गीत म्हजें घोळता !

लक्ष्मणराव सरदेसाय

## पर्वत म्हाका जावंचें आसा

तें पडटात तेन्ना हांव वाडटां,
दिवन म्हजें बळ तांकां
एक दीस उबे करचे आसात
प्राणाची फूंक घालून
त्राण तांकां हाडचें आसा.
पडटात ते पडूं दी खुशाल.
पर्वतावरी हांव थीर उल्लों
जाल्यार,
सगळे उबे रावतले गा.
मोड येता
झाडां-पेडां हुमटून पडटात.
कुसून तांचें मारें जाता
तातूंतल्यान कोंब फुट्टात
नवे रूख झेलयत आंगार
पर्वत मात थीर आसता
पर्वत म्हाका जावंचें आसा

## उसत...... उसत

उसत......उसत
बोंद्रां उसत
आंगऱ्यो उसत
सांगशो उसत
उसत पेट्रूल
उसत पेटारो
रातदीस उसत उसत.

मान कणली

कम्मर धल्ली
तरीय सारकी उसत उसत
पापये! जाली म्हातारी
तरीय कितलें उम्तितली ?
जल्मभर गावलें ना तें
मेळपाची आस्त कसली !

व्हडलें घरें भाट आसा
मुरगि आसात, नातरां आसात
धुवो आसात, सुनो आसात
सोदता अजून कितें पिशे,
वोंद्रां चिद्रांत नशीब तुजें ?

पूत तुजे पांच पांडव
कर्तुपाचे व्हडले दोंगर
तांचें नांव, नांव तुजें
फांकता गायर जशो परमळ.

घोव तुजो गुणां-शिसो
लोक जाता सामको पिसो
तोखणाय तार्जी करची सोडून
सोदता कितें...सोदता कितें ?

## आमी सत्तेचे मानकरी

आमी सत्तेचे मानकरी
आमी अहंकाराचे पुजारी
आमी सुवार्थाचे उपासक
आमी दांभिकांचे कैवारी
आमी लाचाऱ्यांचे राखणदार
आमी दुस्टांचे वाली
आमी नस्टपांचे मोगी
आमी गुणेस्तांचे दुस्मान
कला आमची बटीक
ज्ञानी आमचे चेंदे

स्वाभिमानाक आमी
चाबकान फोडून काडटले
जाय आमकां स्वातंत्र्य
मन्तेर येवपापुरतें.
आमचीं मतां अमान्य तांका
आमी भायर धांवडायतले
वडवचार स्वातंत्र्याचो
सभामर्दी करतले
ताठ मान, ताठ कणो
असले मनीस खपचेनात.
बंदेपण करतल्यांक
आमी वैस करचेनात
आमचे लागीं येतल्यांच्या
गळ्यांत एक एक धोलकें
आमचें व्हडपण गायत तांणी
जळीमळीं हेडचें
आमची भास आमकां नाका
आमची भूंय आमकां नाका
दुसऱ्यानी भास घेवन
व्हडले आमी जातले.
पूर्वज आमचे व्हडले व्हडले
कुशीक आमी उडैतले
जानपात 'चळगें' आमचें
तांचेर आमी जियेतले
आमच्या व्हडल्यांक कुस्कुटावन
वळीश्ट आमी जातले
आमचे आड येतले तांकां
सदां आमी धोंसतले
सत्यान वागतल्यांक
चिड्ड्रमा झड्न मारतले.
फिरग्यांचें बंदेपण
केलें आमी जाल्यारूय
हुंई फुडें काडून आमी
'जयहिंद' म्हणटले
आमचें उतर न्यायनीत

हेर सगळें अनीतीचें
उद्‌घाटनां-समारंभ
आमचे लोक करतले
स्वतंत्रताय हाडली तांका
परोपरीन छळटले.
लोक आमचे बंदे
आनी देव आमचे पांगी
बंदे आमचे हजरांनी
आमची पुजा करतले
आमी मेले जाल्यार-
पुतळे आमचे उबारतले
आमचें नांव अशेभशेन
अजरंवर उरतलें

## व्यथा म्हजी

व्यथा म्हजी जगाभायली
व्यथा न्हय शरिराची
व्यथा न्हय इंद्रियांची
व्यथा म्हज्या पिंडाची.
व्यथा दिसना
व्यथा कळना
व्हडल्या व्हडल्या वैजांक
व्यथा म्हजी उमगना
घरांत बरें सुभिक्ष आसा
बायल भुरगीं सुखांत आसात
नातीं-गोतीं ताण आसात
तरीय व्यथा थामना
व्यथा म्हजी सावळेभशेन
फाट म्हजी सोडिना
व्यथा म्हजी जादूची
आनंदाचो शिवर काळपी
सगळीं सुखां कडसाळून

व्यथेक वेंगावून बसलां
व्यथा म्हजी भोव मोवीत
सर्गापरस गोड गोड—
सर्गाचेर लाथ मारून
व्यथेक हांव वेंगायतां
व्यथा म्हजी करुणेची
मनशांच्या मोगाची
भोगलीं सगलीं सुखां
आनी त्यागले सगळे भोग
पुण व्यथेंत म्हज्या पाझरतां
असली व्यथा, घोर-थोर
जगाभायली म्हजी व्यथा
जगाभायली
म्हजी व्यथा
व्यथा म्हजी
देवाकृपा
म्हजी व्यथा
देवाशाप
शापाच्या वायटांतल्यान
सरता भायर
म्हजें त्राण
म्हजी व्यथा निजाच्या
चला आयल्या——
चलतली——
अशीच फोंडा मरेन
म्हजी व्यथा
पातकां धुता
कुडक्या पिशा निसर्गाचीं

## संकेतांचे कोट फोडून

संकेतांचे कोट फोडून मेकळो जालों.
आनी सुखाक पावलों
ल्हान-व्हड संकेतांचीं

उग्र भुतां
तरेतरेन नाचतालीं
कोण मेलो- चल रडूंक
कोण जालो- चल हांसूंक
कोणाचें लग्न आसा—
चल बेगीन चोवाळूंक
कोणा कपलाक मिरो लागलां
उठ, धांव—पाचारूंक
अमको कोट घालूंक जाय
अमकें पडवें न्हेसूंक जाय
सवळें आंगार ओडूंक जाय
नात्याचो कोणय मेलो—
कडक सुतक पाळूंक जाय
सादी चीट घेतलो—
स. न. नि. वि. घालूंक जाय.
देवा देवळांत गेलां जाल्यार
पोटें फोडून वेवंक जाय.
जल्मादिसा इश्टाच्या
भेटी व्हरूंक जाय.
घरांत सगळें सडसडलां...
भायर गिरेस्त दिसूंक जाय.
निश्ठा ना देवाचेर...
भाविक नाटो भासूंक जाय
बायले गळयांत ना जाल्यार फुटको मणी
जायां वरी हाडूंक जाय
पावलां राखल्याक संकटांनी
रुपडी असलो घालूंक जाय.
स्वर्गी सर्नाम करून गेलो
उस्नून नाका माडूंक जाय.
पयलेचार कांयना जाल्यार
मनशानसून उडूंक जाय.
संकेतांक भायर केल्ले
तेन्ना मुग्याक पावलां हांव.

■

## पांडुरंग भांगी

### तीन कविता

१

देशांतराक गेल्लें तारूं
तुज्या दोळ्यांतल्यान परतता
तेन्ना मळबय सकल देंवन
काळजांत गोठेता.

२

झाड-पिको आंबो तसो
आयलो सांजचो वारो
वाजलो नादार चुडो आनी
रंगलो मुखा विडो...

३

त्रिकाळाच्या धनया !
गगनांत चंद्र
फुलयतलो जाल्यार फुलय
आनी उतरांक
इंगळो दमय
अन्नाचे पांगीन दवरूं नाका
गगन हलकट करूं नाका

### गगनांतलें झाड म्हजें

गगनांतलें झाड म्हजें
भोंवता दिगंते
अदृष्टाचे मोर लागले
नाचूं भितोडे
म्होर लागले नाचूं तशीं

झाडां पेट्टी दिवजां
नाचतां नाचतांच म्होर जाले
दुस्वांताचीं झोगलां

## दिस्टावो

मातयेचीच कूड ही
मातयेकच मेळचेली
मातयेंतच रुजता भात
त्याच भातार पोसचेली

मातीच ही सगळी खरी
मातयेचीच पूड
तरी तिचे गर्भकणयेंत
हावेसांची चूड

हेच चुडी उजवाडार
झेलतां खेळयत ल्हार
ल्हारा, ल्हारा, काळजाक म्हज्या
न्हिदेंतय जाग

ही जाग–उदेन्ता
भाग्याचो सुगर्वो
आनी म्हज्या पातकांकय
फुडारायो दिस्टावो !

## वाट

अस्कडी ही वाट म्हजी
आजून मोपून मोपना
फातरांचीं जावन फुलां
वाट म्हजी पर्मळना

कस्पा सारकें आमा कितलें
कांयच हातान घडलें ना

कांटे - खुंटे तोपले मात
पुणून रगत आयलें ना

अशे अेके देगेर पावलां
वाट फुट्टून फुटना ( ... )
थांग म्हज्या काळजाचो
म्हज्या म्हाकाच लागना !

## हुमकळणी

कथेंत आडकथा
फागराक आडफागूर
खांवयेक आडखांदी
अशी जीण वळची
म्हणून आळें धल्लां
मुळार शिंपी घाल्या
तरी थंडाय धरना
हाड तिजें पालेना

पावलांक पाळ फुटना
म्हणून भुंयेर धरना
पांखांय जिणेक फुटनात
म्हणून उड्डंक पावना

कित्याक अशी हुमकळणी
म्हज्या म्हाकाच कळना
मळब अशें तिरायत
वारोच आज सोंशेना !

## सावळी

घोंटिल्लया मळबाचेर
कांतयल्ली बावली
केन्ना तरी शेंडिल्ली
म्हजीच ती सावळी

हावेसांचे धल्ले कळे
मळ्याक आतां फुटले दोळे
लक्ष तांच्या व्यथांचे
धर्तरेक दुवाळे

ल्हवू ल्हवू रात देंवता
सावळेंतल्यान झिरपता
थेंब्या थेंब्यांत सप्नां जागयत
सरांव म्हजो घेवंक येता

कित्याक धरुं खंत आतां
हावेस म्हजे जियेतात—
रेंवेंच्या कणा कणाक
ल्हारां हाड्टात नवी आग

रात आतां शांत उबी
कांतयल्ली बावली
हावेसांचे उर्वेची
म्हजीच ती सावळी !

## भाग्यवंत सपन म्हजें

भाग्यवंत सपन म्हजें
दवार आतां पिकतलें
थोड्याच अशा घटकां भितर
गिराण म्हजें सुटटलें

२

सपनांतली परी
अशी म्हजी नारी
धर्तरेचें नातें सांगत
म्हन्यांत आसा उबी !
दोगीय अशो गर्भाळ
दोगीय अशो पिकाळ
म्हणून तर तेजाळ
दर्याच्या ल्हागांचेर
रेखतात म्हजो फुडार !

३

धर्तरेचो पूत हांव
कसो जायन अभागी ?
फुडाराचो धनी हांव
कसो जायन अपेशी ?
अित्सा म्हजी ऱ्ळार
उड्टा मेकळ्या मळग्रार
मोतयांचो चारो तिका
दर्याच्या ल्हारार
दर्याच्या ल्हारार !

## हांव वतलों

हांव वतलों, त्या वेळारय
सवणीं गायत आसतलीं
आनी तिनसांजच्या वेळार
दारामुखावेले मोगरेक
रसरसून मोगरीं फुलतलीं.

आयचे वरीच तेन्नाय बी
मळब रंगत रावतलें
म्हगेल्या घराच्या आंगणांत आनी पोरसांत
गीम आपलो खेळ खेळून वतलो
जीण फुडें फुडेंच वचत रावतली
हांव मात सगळ्यांकच पारखो जातलों.

म्हज्या घराचो लामणदिवो
तो मात पेटत आसतलो
आनी हांव नासुनय
ब्रह्म जाल्लो म्हजो अंश
संवसाराकडेन
नवें नातें जोडून रावतलो.

## पावस आयलो शिंवारा

पावस आयलो शिंवारा
भायर सळ्ळो भोंवारा
अन्रूपांचें सवणें अेक
आयलें म्हज्या घोंटेरा
ताळये ताळयेर नाचलें आनी
उडलें दिगंतरा—
पर्जळून कवनां म्हजीं
आयलीं आतां चंवरा
रशांवांच्या दिव्या म्हज्या
ऊप रे सगळ्यो पलतडी
घरा घरार झडूं, तुज्या
उजवाडाच्यो वावझटी!

## दीपराग

सगळ्याकच अेक धार चडल्या
सगळ्याकय अेक धार...
चांदन्याकय अेक धार
तुजे म्हजे नवरेकय अेक धार
पेल्या दरवठ्यार अेक भावीण गायता
तिच्या गळ्याकय अेक धार!

केन्नाच ती अशी गावंक नाशिल्ली
जो तो सांगता...
पाळण्यांत अेका भुरग्याक जाग येता. सकाळटा
दुभाव ना सकाळटा
तुज्या म्हज्या दोळ्यांत राया
रातचोच दीपराग जळटा!

## जंत्री

अेक म्हातारी - नित्यनेमी
सदां उठून हुंब्र्यार बसता
अेक भट - देवधर्मीस्ठ
देवाक सदांच गाळी घालता.

अेक मोटार - खटारो
धुकलुनय कशीच चलना
अेक पिस्तोल—पोकें
दाखयल्यारय कोण भियेना

अेक काबळ्या आवय-चिचोंदर
सदांच भोंवती भाग्रत
उस्तवाऱ्यो करीत रावता
आसून थोंटी अव्रगीत

अेक शिंवळ–तितलीच नेमनीस्ठ
घोवाविणें पतिव्रता
अेक घोव्र मात–फकांड कसो
फक्त तिळ्याकच आधार जाता !

■

—गजानन रायकार

## कशें तुका रे मेळचें

आलतडीन हांव पलतडीन तूं
कशें तुका रे मेळचें
यमुने आयलो हुंवार कृष्णा
आतां कितें रे करचें ! ॥पा॥

भिजली साडी, भिजली चोळी
भिजलो काजळ कांठ
बुडून गेलो जळ भरपाचो
कालिंदीचो घाट ! ॥१॥

धुंवळ आयली चराचरा
काळोख काळो दाट
दिसना जाली पांयासकली
कुंजवना वाट ! ॥२॥

भयण यमाची खरीच कोपली
कशी सोडची तार
हांव ह्या तिरा तूं त्या तिरा
आज पावसांत ! ॥३॥

## लामणदिवो

लाय तुजो लामणदिवो
म्हजे गर्भकुडीं
लावन तुजो दिवो वाये
उजळ म्हजी कुडी ! ॥पा॥

हळदीचीं पावलां तुजीं
हुमऱ्या म्हज्या लागलीं

त्याच दिसा घरा म्हज्या
      देव-कळा आयली ! ॥१॥

भलेली हुट न्हय तुजी
      लक्ष्मीची मूठ गो बाये
ल्हान उतरान वडलांची
      मोटीं मनां जीख गो बाये ॥२॥

चंदनाच्या हातान वाड
      अमृताचे घांस गो बाये
येतल्या-वतल्या घरां दिसचो
      लक्ष्मीचो वास गो बाये ! ॥३॥

## चंद्र उदेलो

चंद्र उदेलो
हांसो उफेलो
      तुगे-म्हगेलो !

रात कळेली
भूल बळेलीं
      तुगें-म्हगेली !

चान्ने चंवलें
पिशें शिवलें
      तुगें-म्हगेलें !

दिवे उजळ्ळे
गीत घुंवळ्ळें
      तुगें-म्हगेलें !

## रास !

दर्या ल्हारां
खेळती धालो

वारे वादळ
करता कालो
घना घनान
मळबांतल्यान

शिमगो केलो
शिमगो केलो !

वावटळीन
धुळवड केली
मेघशायान
शिंपल्यो सर्‍या
राधेवरी
धरतरेर

रंग माल्लो
रंग माल्लो !

रानां वनां
चिंब न्हालीं
उचंबळून
आयलीं तळीं
खदखदून
क्रुद्ध न्हंयों

नाचूं लागल्यो
नाचूं लागल्यो !

व्हझरे घोगे
खेळती खेळ
तालगडी
नाचती मेळ
विजू बायेन
नाचतां नाचतां

घातलो दोळो
घातलो दोळो !

चराचर
आलें गुळ्ळ

पाना पाना
पडली भूल !
गोपीं वांगडा
कृष्ण देव

रास खेळ्ळो
रास खेळ्ळो !

## जोडी जमली गो

गिमशी गाळी पिकली गो
तुजी म्हजी जोडी जमली गो ! ॥ पा ॥

आमुली फुटली ताळयांनी
हांसली आंकरी चंवरांनी
वासान तकली चडली गो !
तुजी म्हजी जोडी जमली गो ! ॥ १ ॥

पुनव आयली व्हळयेची
चैत्रा केळवण पणसाची
विजय नाखांत रुजली गो !
तुजी म्हजी जोडी जमली गो ! ॥ २ ॥

चुम्नां, चारां दोंगरांनी
बोलसां भरचीं भिण्णांनी
भगळान आंगलीं रंगलीं गो !
तुजी म्हजी जोडी जमली गो ! ॥ ३ ॥

वडाचे सावळे दाटयानी
बसकण माल्ली गोरवांनी
भुतयेची गोडी लागली गो !
तुजी म्हजी जोडी जमली गो ! ॥ ४ ॥

रात जागची काणयांची
काकळूट येवची गणयांची
चान्न्याची चेटकीण हांसली गो !
तुजी म्हजी जोडी जमली गो ! ॥ ५ ॥

वीज जगलता काळखाची
गुंथून सुरगां माळपाचीं
म्हयन्याची मुदत सोंपली गो !
तुजी म्हजी जोडी जमली गो ! ॥ ६ ॥

■

शंकर पर्ळकार

## पांखां

निळ्या मळबांतल्यान पांखां फडफडायत
तो धारे पेल्यान दिसनासो जालो
तो गेलो, परथून ना येवपाक
पुण तुका इतलें दुख्ख कित्याक !
ज्या पांखांनी ताका तुजे पसून पैस व्हेलो
तीं तर तुवेंच दिल्लीं ताका.

## झाड

पयली अेक खांदी पेट घेता
आनी पळयतां पळयतां सगळें झाडच पेट्टा
आपल्या सहस्र हातांनी
अग्निनारायण झाडाक वेंगेंत धरता
तन्ना ताच्या आंगा-आंगान चडटा अेक भार
कोणाकूच ना आटाप्पी
कित्याकूच ना जुमानपी
स्वताचें बलिदान स्वताच्या दोळ्यांनी
पळोवपाची धुंदी आसता अेक औरच
असल्या झाडाक जगणेच शक्य नासता समर्पणाशिवाय
तोच खरो ताच्या अमर जिविताचो आरंभ.

## ते

अेक मनीस चलपाक लागलो
चलपाक लागलो तो थांबलोच ना
अेक मनीस बसपाक गेलो

बसपाक गेलो तो उठलोच ना
अेकल्यान केली अुजवाडाची पुजा
पुजा ताची केन्ना सोंपलीच ना
अेक कोण वयर चडत रावलो
चडत रावलो तो देंवलोच ना
अेक कोण बुडपाक लागलो
ताका कोणं वयर काडलोच ना

## घर

हें म्हजें घर
जाण्ट्यांनी बांदलेलं
जंय हांव जल्मलों, वाडलों
खेळ्ळों, नाचलां, उडणां माल्लीं
वांशान वांसो ह्या घराचो म्हजे वळखिचो
कोनशान कोनसो जावन रावला भाग म्हज्या देहाचो
म्हजे आवय-बापूय देहान जरी नासले ह्या संवसारांत
जाणवता तांचें अस्तित्व म्हाका अदृश्य रुपान ह्या घरांत
तांचे मायेची सांवळी आसा म्हजेर ह्या विचारान
वावुरता हांव या संवसारांत निश्चिंत मनान

हें घर
निशाणी म्हज्या पुर्वजांच्या कर्तुपाची
घाम गाळून तांणी केल्ल्या कष्टांची
तांचे जिद्दीची, तांच्या स्वार्थत्यागाची
ह्या घराचो म्हाका अभिमान आसा
मरण येवंचें तें ह्याच घरांत अशें म्हाका दिसता

आं ! हें कोणी म्हटलें ?
" मुर्खा, ह्या घराचो तुका अभिमान आसा
मरण येवंचें तें ह्याच घरांत अशें तुका दिसता
पुण ज्या पुर्वजान हें घर बांदलें
तो स्वता जंय जल्मलो, वाडलो
तें आपलें घर, गांव सोडून
हांगा कित्याक पावलो, कसले ओडीन ?
हाचो तुवें केन्ना विचार केला ! "

## पाखां अडेर्चीं

हांव समजलों
म्हज्या पाखांनी
हांव हुपतलों
मळबा कडें
पुण
कळून आयलें
तीं पाखां अडेर्चीं
मेणान दसयलीं
जीं तुट्टून पडलीं
झेंप घेना फुडें...

■

## जेस फर्नांदिश

### यादी

गुलाबाच्या फुलावरी फुल्लेल्यो त्यो यादी
पैस पैस हुबत गेल्यो आयज सुखाचे सोदी
जिणे फूल गेलें चावून
सपन वाऱ्यार गेलें हुबून
दोंगोर रानां हुपतां आयज
उदकाच्या थेंब्याक आशेवन
सपना व्हांडें जिणे-व्हारां चिरीत-चिरीत
हावेसाचो चलता रस्तो वाट सोदीत – सोदीत
आयज बाकी उलां कितें ?
फकत सगळें रितें-रितें
सुर्या-देवा तुटून नातें !
सगळोच काळोख आनी कितें !
केन्ना असो मोग मोगाक वळखतलो !
केन्ना मनीस आपल्या भावाक वेंगायतलो !
तिळसांजचीं काळीं कुपां
मनीस जातीक हजार रुपां
केन्ना हो सुवराथ सोंपून
मनीस आपले खरें रुप दाखयतलो ?

### पच्छताप

हांवें तुका दी म्हूंटलें
आनी
तुवें दिलो म्हाका
रितेलो पेलो.
हांवें तुका व्हर म्हूंटलें

आनी तुवें
म्हजो शिता-तोप व्हेलो
हांवें तुका सांग म्हूंटलें
आनी तुवें
फकत म्हजेर गुन्यांव थापले !
हांवें म्हजें आयक म्हूंटलें
आनी तुवें
सामके तुजे कान धांपले !
हांवें तें दीस दिलीं तुका
म्हगेल्या भरवंशाची फुलां
पण तुवें
म्हज्या माथ्यार
कांट्या कोपल
नेटान मोखून दिलें
आनी ते दिसच्यान
म्हजें जिवीत
हजार लोकां-हांसयाक
म्हारग जालां.

■

विजया सरमळकार

## सांग गो केन्ना साकरपुडो

ओंठा ओंटांत रंगला विडो
हांसता केसांत जायां पुडो
पडला पोल्यार लजे सडो
सांग गो केन्ना साकरपुडो ॥ १ ॥

कारणाविण हांसती ओंठ
पालशी नदर चाबता बोट
सूर नुलयत देंवता गळयांत
रस्मी भाव फुल्लया दोळयांत ॥ २ ॥

चालींत आयल्या हतयागती
चाडग्रा शिंबर पुनवे राती
नदरे गोफीण मोखता गुंडो
सांग गो केन्ना साकरपुडो ॥ ३ ॥

दाखय लिपय करता गुपीत
बोटांकडेन चाळो करीत
मुदयेंतलो सांगता खडो
काल जालो साकरपुडो ॥ ४ ॥

## तारया बेगीन व्हलय तार

शेन्ता पावस, सुटलां वारें
तारया बेगीन व्हलय तार
धवी फुल्ल मोतयां शिंपीत
बांवता पळे ल्हारार ल्हार

आमोरेचें लागले दिवे
चल्यो घरा म्हसरां गायो
घोंसार येवन उगरमल्यो
नखेत्रांच्यो जायो जुयो

किरकिरावंक लागले किडे
चांयवर्शीन काळखी रात
पिलां ओडीन सवणीं
परतूंक लागलीं घोटेरांत

कुळागरांत चुट्टां – खोंपींत
दोनूय दोळयां पण्यो पेटयत
नदरेची वात सारीत
घरकान्न उबी वाट पळयत.

## चलयेक

आंगणातले तुळशीवरी
शिंपून केली ल्हान व्हड
दितना आज दुसऱ्या घरा
दुकान दोळे जातात जड ॥ १ ॥

दोळ्यांत दूख नाका काडूं
दिल्या घरा राव खोशी
सार्थ कर कुळा नांव
कर्तुपां करुन तशीं ॥ २ ॥

आढमेळयांचे येतले दोंगर
जिवीताच्या झुजा मळार
सोशीकपणे ब्रावटो घेवन
हांसत्या तोंडान सर मुखार ॥ ३ ॥

संवसाराच्या भागेल्याक
दी गो तुजी धिरा धिगी
अरिष्टाच्या वोता पारा
माये सावळी घाल बेगी ॥ ४ ॥

फुडले पिढये जा गो दिवो
वाट दाखोवंक फुडाराची
देसाखातीर वावुरपाक
दी गो जाणीव हावेसाची ॥ ॥

## रात

नखेत्राचो शाळ न्हेसून
मळबाचो पदर कसून
मंद मंद पावलां उडयत
काळखी रात आयली नटून ॥ १ ॥

चंद्राचो लायलो तिवो
हरणाच्या रथार उबो
जोगलांच्या पोवना-माळेंत
झगझगता उज्या गायो ॥ २ ॥

दोंगरायेदीं दर्या ल्हारां
पावलां वाजोवन खळखळती
आयली म्हणून रातराणी
गतीकडे गायनां गाती ॥ ३ ॥

नातकां लागलीं कयनां करूंक
वागळां लागलीं धालो खेळूंक
काजुल्यांच्या गुंजुल्ल्यांच्यो
पण्त्यो लागल्यो झिगझिगायूंक ॥ ४ ॥

एक सृश्ट विझली न्हिदेंत
दुसरी जागता खोशे मजेंत
सृश्टीचो चलता नेम
रात दिसा खेळ खेळयत ॥ ५ ॥

## पुनवेची रात

पुनवेच्या चंद्राक पळोवन
जाग आयली सगळ्या रानां
खांदयाच्या हिंदळ्याचेर
        झोंपयो घेवंक लागलीं पानां

धर्तरेची तांवडी हांतर
माखली दुदान भायर भितर
रातराणी लागली मोड्डंक
        वज्रूयाच्या संगीताचेर

उगरमले कुंजां कळे
मोगरेन केले उकते दोळे
कवडां धांपून लागले झेमेवंक
        मेरेवेले तायखिळे

दंवान शिंदल्यो मोतयां राशी
मांवळयो काड्डात उठावशी
जायो जुयो ओत्ती सडे
        हातो लागल्लो उमोवंक कुशी

नखेत्रांच्यो चनरज्योती
कुपां धव्यो कापसा राशी
पुनवेची हांसता रात
नवरूपी व्हंकल जशी

## जिणेंत म्हजे आयलो तूं

जिणेंत म्हजे आयलो तूं
पारजनाचें जावन फूल
तान भूक न्हिवली तुज्या
        परमळांत जावन गुल्ल ॥ १ ॥

जिणेंत म्हजे आयलो तूं
तार जावन सतारीची
सुरांत तुज्या दितना सूर
पडली विसर संवसाराची ॥ २ ॥

जिणेंत म्हजे आयलो तूं
जोत जावन दिवलेंतली
काजळी तुवें काडली पुसून
काजळलेल्या काळजांतली ॥ ३ ॥

जिणेत म्हजे आयलो तूं
सांवळी घालीत मायेची
उजळायली जीण म्हजी
याद उरूंक जल्माची ॥ ४ ॥

## सांगाती

आयुश्याचे दर्यादेंगर
संवसाराचे कांठ्या वाटेर
वांगड तुमी दिलो म्हाका
एकमेकांच्या विस्वासाचेर

भल्लो हातांक पांचवो चुडो
न्हेसलीं पांचवो जरी साडो
म्हुर्ताक उल्लो वेळ थोडो
आंगार भोंवर शिरशिरलो

मनांत भंया भोंवती घोर्णी
दुखावाचीं मुमखीं सुर्गी
वतीत कशे फुडले दीस
संवसाराचे नवे जिणी

हुमन्यावेलें माप ओतून
हतया गर्तान सल्लीं भितर
दोळ्यांतलीं पुसलीं दुकां
खातकुल्यांचे आयकून उतर.

■

### शंकर भांडारी

## गणराज्य

कितलीं वर्सां जालीं आयज ?
        गणाचें आयलां राज.
कोण गणा ? कोण जाणा.
भुगेंपणांत आयकलेलो
        आणकु माणकु खेळताना
आदू, गोदू, फिरंगी, चारी,
        पांचवो आसलो अेक गणा,
हो बी काय तो गणा ?
        हो गणा, तो दिसना.
ह्या गणाचे जैत सदां
        हार हाका खबर ना.
ओंकाराचें रूप स्त्रैं हें
        गणराजा गणपती.
घोवा नांवान, कुकमा आदार
        प्रजे बावडे अबरगती.
ओंकाराची आसनमांडी
        मकाराची पोटागोंडी
ब्रम्ह जरी गिळ्ळें हाणें
        मात पुणून तोडशेना.
सोंड हाजी दावे वंशीं,
        खिणाभितर उजवे कुशीन.
तटस्थशी भासली जरी
        मदल्या मर्दी लांबताना
सुपायेदे कान हाजे
        केद्योय बोबो माल्यो तरी,
मातशी हिंसा केल्या बगर
        आमचो गणा बाडगना.

गणा नांवार झुजर्ता झुजां
आंध्र आनी तेलंगणा.
विदर्भ नी मराठणा
मदों उजो लेर्गात वचना
गोदेच्या उदका पासत
दीसरात वांटपणां
ओंकाराचें रूप जरी
गणराजा गणपती
तिनुय मात्रा गावल्यो जरी
अर्दी मात सांपडना
देखून घडये गणराज्यांत
ग्विणा खिणाक आवर्शणां
कोण गणा ?
कोण जाणा !

## आयलो पावस

आयलो पावस...... आयलो पावस
शिडी शिडी शिडी शेतां भिजैत
कुपार कुपां वाजैत गाजैत
मैमाचें गायन जैत
पैलो वैलो आयलो पावस...
घरां न्हालीं, ऊंच मोटवीं
माड माडयो, न्हाल्यो धुल्यो.
सवळीं न्हेसून
रायल्यो दोंगुल्ल्यो
भुर्कुटल्यो धाकटुल्यो
नद्यो आंबुल्ल्यो
कागदाचें पनेळ करून
चल्लीं पळे भुर्गीं वाळां
उदाळांत बसवशीत
आयन धावोस पाळां मुळां...
शेतकामती आवतां घेवन,

धांवलो शेतांत बेगीन बेगीन.
धर्तरेचें मळबालागीं
आयज मुगा लागलां लगीन.
वाऱ्याभटान म्हणलो मंत्र
अंत्राळाचो अंतरपाट
दक्षणेक माड माम
चुडटांचे करून हात.
व्हंकलेच्यो होंटी भरीत
मुर्गुट्टी तांबडी ल्हारां
फोफळांच्या अक्षतांनी
आयज भलीं कुळागरां.

## गोमटें गोंय

गोड गोड गोड गळ्यान
गोंमटें गोंय गायता
संगीताच्या निजान ताऱ्या
निर्गितल्याक होरायता १

नाचता तालार ल्हागर ल्हार
जुवारेचीं पांयजणां
वाजता सुरान अेकतान
मांडवीचीं मांदोलीना २

माड माडयो म्हण्टी मांडे
शब्दुल्यांचीं दुल्पदां
जायां जुयां परमळांत
आब्रोलेचीं मोनी पदां ३

सोब्रित सुकणीं, नाचता देखणीं
रुखा रुखा कणकणीं
वाजपा नादार झेमता पळय
जाग्रणाची रातराणी ४

मृदंगाचो बोल जसो
दुदाचो घसघसो

पानां पोवनां मारता मोखून
वाऱ्या वांगडा पिंपळ पिसो ५
सूर्या हांसता, दर्या गाजता
धर्तरेक होरायता
गोड गोड गोड गळ्यान
आमचें गोंय गायता ६
जन गण मन अधिनायक
मेकळ्या गोंयचे गीत आयक
दो रे मी फा......
सा रे नी सा......
आमचें गोंय गायता ७

## पर्जळटी सोंपली वात

सैमाचे दिवलेंतली
पर्जळटी सोंपली वात
आयज सगळ्या संवसारांत
अकस्मात काळखी रात
उजवाडाच्या सुर्या-देवान
आयज मोडलीं किर्णां काळीं
मनशांतलें माणिक सोदूंक
दुख्ख भोंवता जळीं मळीं
वाऱ्या वांगडा धोलपी माड
आयज उबे मोने खांबे
पान लेगीत हालयनात
पणस पिंपळ आनी आंबे
रुखा रुखार दुकां सया
हुंडके पाना कण कणीं
आयज अकस्मात तुटलो
धर्तरेचो म्हुर्त मणी.
शांतताये बावलें सालिक
गुलाबाचें सुकलें कळे
रडून रडून तारवटून
मळबाचे सुजले दोळे

भडभडून आयले आयज
शांत हिंद सागरा
कळवळून घेतले वेंगेंत
मांडवीच्या मोगाळ ल्हारा

आयज शब्दब्रह्मांतलें
जालां अेक उतर उणें
जवाहरा तुजे विणे
रितें रितें आमचें जिणं.

■

माधव बोरकार

## वजें

म्हज्या माथ्यावयलें जड वजें
आतां हांवें
तुजे वाटेवयल्या
विस्वासाच्या दवद्यार
तेंकयलां...

आन माथ्यार
सगळो संवसार
फुलसो जाला...

## घरदार

मळबाक फास्कीं
म्हज्या जनेलांचीं
अशें चित्र वण्टीर
कुड म्हजीं मोवलीं

घराक हांवें केलीं
दारां उजवाडाचीं
हुंवऱ्यार वाजलीं,
घुंगरां कोणाचीं ?

त्याच घुंगरां लयेचो
हांवें धरिलो ताल
औरांत उल्ले तरून
म्हजें घर–दार...

## जीण

हे घामाचे थब
मिठाच्यो कणयो
जिणेक आज
नवो सुवाद...

उक्ते म्हजे छातयेर
तरसादीचे घेतले घार
फुटलो झरो रगूताक
जिणेक आज तिर्था-न्हाण...

## कूड

पाना पानांनी
पाखांची फडफड
म्हाका म्हजीच
जाल्या कूड जड.

म्हजेच्च असो
पांय चिखलां रोंविल्ले
कानार गाजतात
मळबाचे उलें.

हात म्हजे वयर
म्हाकाच जिखतना
हात म्हजे मुखार
म्हाकाच मागतना

### कविता

मेजार मोने
दोन उस्टे पेले
ओंठांर ओंठ ओले...

आद्दोळो पाव्‌स
चिप्प न्हालीं रानां
मोरांच्यीं मिथुनां...

## सांगाती

गर्दीत वाट चुकलों तेन्ना मायेन उखलून हाण्डीर धरचो म्हाका कोणें
दुखाचें रडें खोल कोंसळ्ळें तेन्ना पांयार घालून गीत गांवचें कोणें
देंवते वयले निसट्टेर पावल फसलें तेन्ना तोल सांवरचो कोणें
मळबाचें पाखें माथ्यार कोंसळटना चार धिराच्यो म्हेडी लावंच्यो कोणें
कोण म्हजे धरचे कोण म्हाका परकीः लेखूं खंयच्यीं नातीं ?
म्हज्या सुखांनो दुखांनो; अंतीं तुमीच म्हजे सांगाती...

## काळी काळखाची मातीं

काळी काळखाची मातीं
हांवें कोंबायल्यो रातीं
रीग म्हजे कुशींत
प्राणांच्यो लावन वातीं...

दोळयांची भिरीं म्हजीं
पैस गेलीं परगांवां
वाट काडीत आयलीं घरा
म्हजी आंधळी तारवां...

काळखाचे मातयेंत
हांवें सपनां रोयलीं
काळजावेलीं नागडीं
रानां चांदन्यात पालेलीं...

## म्हज्या संचिताक हांव

म्हज्या संचिताक हांव गावंक लायतलों तेन्ना
संवसारांतल्या सगल्या दुख्खांनो
विखाळ घायांनी रसरसलेलीं तुमचीं काळजां पिळून
म्हज्या उतरांचे गंगेंत तुमी व्हांवन वचात
संवसारांतल्या समस्त सुखांनो
गंधभारान लवलवपी द्राक्षां मळयांवरी तुमच्या मनांनी
म्हज्या सुराक तुमी मायेचें मोवण लायात...
हे काळाच्यो वेणो मोंसपी सुर्या !
म्हज्या गितांखातीर तुज्या साक्षात्कारी अर्थाचे गर्भ
उदेंतेच्या कुसव्यांत पोस...
आनी मागीर हांव म्हाकाच
म्हज्या गितांनी अळंग मोडून दितलों
मळबायेदीं शिडां फुलोवन नक्षत्रांच्या उजवाडांत
दोंगरायेद्या मोडांलागीं झुजां खेळत
अकल्पिताचो माग काडीत
दर्याफाटीर विडविडपी तारवावरी......

## उतरांच्या गर्भकणयेंतलो

उतरांच्या गर्भकणयेंतलो
फायच्या दिसांचो दिष्टावो
म्हज्या प्राक्तनाच्या
गांवा – शिमेर
उदेंतेच्या पर्जेळाची वार
पुरून गेलो...

म्हज्या पांशूय प्राणांनो,
अशा धाय – दिकांच्या आरतेर
उंवाळून उडयात
तुमच्या हाडांमासाच्या चिखलांत
खोल तळा मेरेन रोमून बशिल्लो
सांवळयांच्या कातीवयलो
युगांच्या कळंतराचो काळोख......

## तीं ल्हारां

तीं ल्हारां दर्या देगेर
फुलां जावन फुटटात
तीं ल्हारां मळबाचेर
कुपां जावन घोलतात...

तीं ल्हारां म्हज्या मनांत
सपनां जावन खेळटात
तीं ल्हारां तुज्या ओंठार
चंवरां जावन हांसतात...

■

हिरालाल कामत

## सकाळ

पावलां रेखीत आयली सकाळ
उजवाडाचो घालीत उलो
घाल्रून गळयांत उदेंतच्या
झिलमिळयांचो मोवाळ झेलो.

रुखां वालींक आयली जाग
सपनांतल्यान उठले कळे
नवाळ वतान न्हावन दोंगर
पांचवेंचार न्हेसले सवळें.

सुकणीं गायती गितां–पदां
संवसाराचेंच देवूळ जालां
किर्णांचे कंगरकिसींत
अप्रुपाचीं फुलांच फुलां !

## शीड मर्दीच तुटलें आतां

शीड मर्दींच तुटलें आतां
कशें चलोवं जिणे–तारूं
संवसाराच्या मममंदिरांत
थिराक कोणाक उलो मारूं ?

भुरग्यां माये येतात ल्हारां
बुंबता तारूं आलतडीं
तांडेल म्हजो फुडें गेला
साद घालता पलतडीं......

■

अरविंद ना. म्हांबरो

## माजराचें हळदकुकम

संक्रांतीची
परब धरून
माजरान आडायलें
हळदकुकम.

खेत्याक आपल्या
बराबर घेवन
चिचोंवर आयली
वायण व्हरूंक.

बुकल्यान दिल्लो शाळू न्हेसून
माजर आयलें भायर
दिश्ट ताजेर पडनाफुडें
चिचोंदर जाली पसार !

## भिकू म्हालो

भिकू म्हाल्याचो
भेस बरो
काळी तोपी
धवो सदरो.

सकाळीं उठून
कापणे खातीर
भिकू वतालो
गांवचे भोंवडेर

नेहरू, केनेडी
सांवळे, मतें
वाचड्या भिकूक
सगले सारके.
तोंडांत गजाल
वोडार कातर
भिकू म्हाल्याची
सुग्रूस खबर.

कापणे उपरांत
गिरायक विचारी,
" कापणेचे पैशे
कितले दिवं ? "
मान बागोवन
भिकू म्हणऽ,
" आयज दिसा,
काय फाल्यां येवं ? "

उपरांत अेक दीस
भिकू म्हालो
अकस्मात बावडो
मरून गेलो !
गांवचो लोक
हळहळ्ळो ऽऽ...
जसो काय तांचो
सोयरोच गेलो... !

## नुस्त्याचें नाटक

न्हंयेंच्या पात्रांत
जालें अेक नाटक
नांव ताजें
"संगीत महाभारत."

सगल्या नुस्त्यांनी
घेतलो तातूंत वांटो
स्टेजमास्तर जालो
आगशीचो शेंबटो.

विस्वण जालो
तालीम – मास्तर
गोबऱ्याक म्हणूं लागलो,
" भीमा, गदा धर ! "

कळंगुटची शेंबटाळी
जाली सुभद्रा
तांबशाक म्हणूं लागली,
'आरे क्रिश्ना, तूं म्हजो दादा !'

द्रौपदी मोवर्ली
मुरगांवची मुइडशी
खर्चडिक म्हणूं लागली,
" तूं म्हाजी दाशी ! "

## मसका–सांग आनी पणस

मसका – सांगक
म्हणटा पणस,
" तूं गे कित्याक अशी चारीक ? "

पणसादादाक
म्हणटा सांग,
"तुजी फाट रे कित्याक खरखरीत ?"

पणस म्हणटा
लजेत लजेत,
"आवय मारता दिसूयभर,
देखुन आयल्यात फाटीक वळ ! "

सांग म्हणटा
रडत रडत
' बापूय म्हाका बाडिना,
देखून हांव मोटी जायना ! "

## झगडं

कदेलान दवल्ले
मेजार पांय
आनी म्हळें,
" हांव तुजी शेमांय ! "

मेजान काडलो
कदेलाचेर राग
आनी सगळ
मोडले ताजे हात !

तितल्यांत उडलें
तिनखुरी स्टूल
मेजाक म्हणूं लागलें,
" यू आर अे फूल ! "

वल्तरान तितल्यांत
दिली जांवय
आनी म्हळें.
" आवस् आवस ! "

## शांतो मुस्त्याक वता !

बाजारांत बचून
करमळेचो शांतो
व्यान्नीक म्हणूं लागलो,
" म्हाका जाय शेंवटो. "

व्यान्नीन विचाल्ले,
" खंयचो कोण गा तूं ! "
शांत्यान सांगलें,
" शाणू पोरबुलो पूत हांव,
त्र्यंकुशणैलो नातू
तिरीदादालो मोयरो हांव,
भाष म्हजो तातू. "

व्यान्नीन विचाल्लें,
"शेंवस्याक दिशीत म्हय गा रुपय ?"
शांत्यान सांगलें,
" रुपयूच कित्याक ?
लाख दियम...
शेंवटो रुचीक आसल्यार
भाट दियन ! "

व्यान्नीन म्हलें,
" आवय आवय,
बाबा तो म्हाजो !
शेंवस्यासयत
गोवरीय व्हर ताजो ! "
शांत्यान म्हळें,
" दोनांयचे से हे
शेंबर पैशे.
नुस्तें रुचीक आसल्यार
वार्कांचे दिवंचे ! "

■

पुंडलीक नारायण नायक

## म्हजो बांगर बैल

अेका बांगर बैलान
आतांच दावें तोडलां
गवण मोडून
भल्ल्या गोठ्यांतल्यान...
बैल उबी दोंड हुपून गेलो
रुखां - झोपां माडीत गेलो
शिंगार रगत माखयलें
कपलार तिबे सोबयले.

बैल शिरेर मदेल्लो
बैलान धेंकर गाजयलो
बैलान पागोच बदल्लो.
बैलान जूं शेंडायलें
नांगर - गुटे मोडयले
बैलान किरय किरयलें
घट थंय जिरयलें.

कासरे कानयेक बदना
बैल चेंचूंक जमना
बैल विकूंक फावना—
बैलाक म्हज्या किरोवंदी
जाय तसो मिरोवंदी...
बैल फुडल्या पाडव्या येवचोना
पुजेखातीर तिश्टचोना
जाय तसो जाय तेन्ना येतलो
शिंगां दाखोवन पुजून घेतलो.
बैल म्हज्या बावन्न कुळांचो उद्धारी
बैल म्हज्या कुळाचो वारस

## आर्मी कोण....

आर्मी कोण...
हाजी जाप तुमका काळूच दितलो
अशें आमी म्हणचेनात.
ती आर्मीच दितलें.

आर्मी, आर्मी न्हय जाल्यार
काडोन वतलें,
आमचें नांव निशाण
आमच्याच हातांनी धुवन व्हडयतलें.
चंदनांचो आमलो दर्या
जाणी मोन्यारीं पिवन व्हडयला ते आर्मी:
तांबडे मातयेकडचें इमान
जाणी आजून घाणांक दवरूंक ना,
तें आर्मी.

आर्मी कोण ?
स्वंयच्या बाडवडिलांच्या दायजाची
मिरास मिरोवपी तिव्याभर्ना न्हय.
कोणा दायजी गोत्राच्या पालखान
घोडकां वयर सारपी पर्धिगे न्हय.
कोणाच्या मोन्यारांटान च्टायपी
आमच्यो जिवो न्हय,
कोणाचें पावलें चवलेंक मुळपी
आमची पावली न्हय.

ही शिरंसरां वेंन्त्रवार
मळभळटलो तो तांबडोभडंग रसरूप,
ह्या दोळयांच्यो मुंडळयो फोडल्यार
तातूंत जळटलो तो
मळबाच्या श्यामाचो वमबम

ह्या कानाच्या पड्ड्यार तोणी माळ्यार
घुमतली ती
साता समुद्रां पलतडची गाज.
आमी थोडें उसगं पावले;
पुण उसगं येवपी पावसांत लगीत
आसता तुफानांचें वळगें.

आमी येवंचे आदीं
जाणी दुर्बळ कुडींतलो रगताचो निमाणो
थेंब पासून स्वर्शीनासताना घोटलो—
मर्णाच्या निमाण्या स्थिणामरेन
जाणी तांकां माथ्या वयलें वजें
सकल दवरूंक दिलें ना
त्या समेस्तांक—
गुन्यांव भोगोम... !
त्यांनीच सांगतां,
थाव लागनाशिल्ल्या
ह्या अथांग काळजांत
सूडाची किटाळूय उसळना.

आमच्या जल्मावेळार
आवयच्या वेणांचें आंगलें
आमी आंगांत घातलां म्हणून जायत...
ह्या संवसारांत येतानाच
खोपीच्या बुराकांतल्यान
सूर्याचें बिंब
आमच्या दोळ्यांक भिडलें
म्हणून जायत—

## आजयेची काणी

थंय आजी तेन्ना
मांडी मोडून काणी सांगताली.
रानांत भोंवल्ल्या सारको
हात माथ्यांत भोंवतालो.

शेता-बांदार कोले कुयेताले
आजी सांगताली, पावस पडटलो
तेन्ना खऱ्यांनीच दडकेर
नळे वाजताले, पांयं सरसरताले.

तेन्ना राजकुंवरीक- काणयेंतले
भांगराचे कोंगरे केंस आसताले
तरी आसताना ती न्हाताली
व्हांवते न्हंयेर-तिजो गळिल्लो केंस
त्या ऽ ऽ राजकुंवराचे गरयेक लागपाखातीं
आनी अचूक फारावताले.

तोंको सदांच तिनसना
मिठाक बयतालो रडत...
आजी सांगताली, तो मीठ हाडूंक गेल्यार
संवसार बुडटलो ह्या खिणाक; पुण
तो केन्ना पावना.
भिरांत दिसताली तेन्ना
संवसार-बुडटेची, गळोभर उदकाची.

थंय तेन्ना ती
आजयेची काणी
हांगा आसां ह्यो उवो
केसाकणकणी.

कोले रडनात. कित्याक रडचें ताणी....
शेताबांद नासताना.
केंस नाशिल्ल्यो राजकुंवरी
न्हातात दिमा उजवडीं लज सोडून

साटयिल्ल्या कोंडांत
गरथळी नासताना.
तोंको मिठाक वचना तरी
संवसार बुडटा-चलतां चोलताना.

## तुजें पत्र पावलें

तुजें पत्र पावलें. तुवें उगयलां—
... भावनांची उतरावळ अजून
घडची आसा.
उतराकडेन आपाल्या खेळपाची
हालीं तुका संवयच जाल्या.

चमळविरयत मळबांत
आतां तुजीं पावलां, काळजांच्या थेकयार
भग्वशाचीं नक्षत्रां जावन
तूं अशें नदरे पैस आसूनय.

पिश्या...
अशें रडपाचें नासता
धायदिको पेटल्यात म्हण !
सांजभांगेंत कुंकूम भरतल्या
सूर्याक लेगीत
दीस सांसचो पडटा...

## वनवासी

कोणें मारिल्ली गा खुंटी
कोणें जोडिल्ली गा मठी
कोणें हातासलें गा आतां
चारी वाटां दळीद्र वोतां
कोणें वसयल्लीं गा थळां
तकल्यो शेंपड्यो हाडून फळां
आतां मठयेचो गा धनी
धायदिकां असो रानीं...

## म्हज्या घराची वळख

गायच्या पान्यांची धार
कासांडेंत वाजताली
अशें दुदा सकाळीं
हांवें घर सोडलें.

आंगणातलो चांफो
उलगडूंक नाशिल्लो
पोरसांतले कंबा थवे
वाळगूंक नाशिल्ले.

गव्वद वसाचो आजो लेगीत
पोल्ल्याचो उठिल्लो
तुळशीक पदक्षणा घालताना
बापायच्या वगान वरी
मजूक येताल्यो.

घरवांसो करकरताना
पावलां वाजताली अशें न्हय
पुण ह्या घराची वळख
कोणाक तरी करून
दिवपाकच जाय आसली.

## पाडेल्यांनो... तुमी पाडून वचात

पाडेल्यांनो... तुमी पाडून वचात
माथ्यार डिमावळो मारून वचात !
फाटीं वळून पळोवं नाकात,
कोणे कोणाक नाडलें
कोणे कोणाक खणलें...
तुमी फकत नाल्ल कांचलें देंठांतल्यान,

पडों नाल्ल्या मुळातल्यान.
जेंय कितें व्हांवलें
तुमकां कांयच नाका,
तुमच्या नितळ मनांक
कांयच खुपूंक नाका.
नाल्लांचे शरीर कोंमळचें नाल्लांनी,
वोट्ट गाम मजच्या जुंवीच्या चुड्ट्यांनी.
सोडयानचांडो तिजून घेवप,
वांज माडक माग्नून दिवप.
कोण काणाक दिवची चीट...
वोट्ट रक्कम, चाकां अर्दीक देंट.
पिळग्यांचो हिशोब तुमकां नाका
फुडले खेपे कावशा पाडूंक
विसरूं नाकात
पाडल्यांनो, तुमी पाडून चलात
माथ्यार तिसावड्डो मारून चलात.

## दर्याचें गीत

पल्लसडयां उले रे
ओं ऽ ऽ तारी तारया रे
आलतडयां उले रे
ओं ऽ ऽ तारी तारया रे
आयले तडी मठी ताजें
पयले तडी दोळे रे
पयले तडी राटी ताजो
आयले तडी जीव रे
काम रे धाम रे
दोन तडी दोन रे
मदलेमदीं हुमकळटा
केन्नाच्यान कोण रे
भल्लो शिडां वाव तर

लागीं तुजो गाव रे
ना आल्यार ब्रमचो मोदीत
दर्याचो थाव रे
दर्यो रे ताग्यो रे
सरंय वयलो नाच रे
दिसले तरंग आंवळनात
मर्णाचि पास रे
ओडटें पाणी थीर जरी
ग्विणाचो धीर रे
चड्टें पाणी सुस्त जरी
पावता तडी ज्युस्त रे
येवंचे रे गावंचें रे
दर्याची रीत रे
मुकती रे भरती रे
जीणेची रीत रे

■

### चा. फ्रा. द कोस्ता

## मिठाची कणी

पेजे वाटलो हातीं घेवन
दर्या वेळेर रावलां
कोणी विचार नाकात चोवून
‘ तोंड कित्याक ब्रावलां ? ’

एकच आसली मिठा – कण
पिशें आशेन बुडल्या
दरया येदी जाता म्हण
धांवन दरयांत उडल्या

दी गे म्हजी मिठा कण
तुज्या उदकांन खिरल्या
निस्सार जाल्या म्हजी जीण
पेज अळणी उरल्या

## मिणकीं नेकेत्रां

मिणकीं नेकेत्रां चोयतालों गो
कणकी मळ्यांत बसुनसो
चंद्र दिश्टुलां लायतालोंगो
मंद मंद म्हाका हांसुनसो
आज तर म्हाका नवल दिशिलें
मोग करूंक तुजो लिपुनसो

रातीच्या थळांत फुडालोगो
मतीच्या सळांक कापुनसो
खिणाखिणाक एक दोळोमुंगो
मनांतलीं गुपितां मापुनसो

मनींतले नवल चिरलेंशें दिशिलें
मोग करूंक तुजो लिपुनसो

कणकेची चोलीं बाहू भिंगो
मिणक्या नेकेत्रांक धांपुनसो
वाऱ्यान चिमानां मोडलीं मंगो
आत्मो उटलो कांपुनसो
चिरलेंले नवल जिरलेंशें दिशिलें
मोग करूंक तुजो लिपुनसो.

नेकेत्रांक चिरमोत दिसलीनागो
रडटालों मनीं झापुनसो
म्हाका कित्याक वाट मुचलीनागो
दोन म्हजे दोळे धांपुनसो
जिरलेंले नवल उरयेत आशिलें
मोग करूंक तुजो लिपुनसो.

## खरस

दधाक भुल्ली, केगाद फुल्ली
माळूंक आशेलों

वानराची चली माळून गेली
हात खशेलों

दर्याचिले शिंपल्यांत कल्ली
चिन्नूंक आशेलों

धाकट्लीं पोगं चिंचुक गेलीं
हांत खशेलों

रसमा - आंगलें धवें नेसलें
आफडूंक आशेलों

न्हवरो तुजो आफडून गेलो
हांत खशेलों

पेटें पुस्तक रितें पुस्तक
वाचूंक आशेलों

वाळय धादोशी वाचून गेलों
हांव खर्शेलों

आमसुरी रात पुण्टेची रात
जळवंक आशेलों

काजुलो सान जळवन गेलो
हांव खर्शेलों

काळेलें मळब, मळबार नखेत्रां
मेजूंक आशेलों

मवाळी पोर मेजुन गेलो
हांव खर्शेलों

अशें तें कशें लागच्यादीं पिशें
समजूंक आशेलों

आयिल्लीं गेल्लीं समजुन गेलीं
हांव खर्शेलों

## झिरि - झिरी पावस

रडूं नका फायच्या झाडा, दीस तगेलो येतलो
झिरि – झिरी पावस, मुटका तुका दितलो
हय, झिरि – झिरी पावस...

फांत्यापर्रां कोगळी. पियान सगळें मळब गाजयलें
आयच्या झाडार चांफलें जालां, दवान तोंड भिजयलें
मुळी आसलेल्या फायच्या झाडान आपलें काळीज शिजयलें
आनी वाऱ्यान ताका भिवय भिवय भिवयलें
येवंचो तुजो येतलो गे, वेंगांत तुका वेसलो

ब्रिरि - ब्रिरी पावस, सुटका तुका दितलो.
हय, ब्रिरि - ब्रिरी पावस...

चांफल्या - मुळीं फायचें झाड खुसूं - खुसूं रडलें
खुसूं - खुसूं रडटां रडटां आयचें चांफलें झडलें
आयचें चांफलें झडटां झडटां
मळबा धांपण उडलें
येवंचो तुजो आयलो गं, दीस तुगेलो अुदेलो
ब्रिरि -- ब्रिरी पावस सुटका तुका दितलो
हय, ब्रिरि - ब्रिरी पावस.

## रमेश वेळुस्कार

### पिसोळ्याच्या पाका

पिसोळ्याच्या पाका
उडों नाका
उडों नाका
दोळ्यांतुल्या दुका
झडों नाका
झडों नाका

पिसोळ्याच्या पाका
उडोन चल
उडोन चल
दोळ्यांतल्या दुका
झडोन चल
झडोन चल

### उकत्या बांधार

त्या उकत्या बांधार
भर दनपारां
धल्ली घट्ट वाऱ्यान
सावरेक
किरमिली
लज भीड धरिनास्तना
तो गेलो--
ती आंग झडपीत रावली

## एक चित्र

पैलाडी सह्लो फुडें अस्तमेचें कपळ रेखून
आयचो दीस, आयची गरज, रंग रेखून घेतलो मोखून
आयली भुलोन आयली फुलोन माध्यांत फूल रंगयाळें
धोलें मळब निळें निळें भांगराचें जालें खळें

पूण आंगशिरें वयतां वारें धुंवर कशी धुंवर कशी
केंस्स्यो सोडून लागली चलूंक सैरभैर पिशी कशी
तशीं लागली चलूंक कुपार - कुपां मंद मंद पावलांनी
फाट करुन सह्ली फुडें अस्तुरेची मूर्त मोनी

## तुज्या दोळ्यांत

तुज्या दोळ्यांत मोरपाखां
म्हज्या दोळ्यांत मोरपाखां
तुजीं म्हजीं
म्हजीं तुजीं
मोरपाखां सोदतना
फुट्टात पाखां
तुका म्हाका
म्हज्या पाखांत
तुजी पाखां
घुसळटां घुसळटां
चोंचेंत चोंच
कळसतां कळसतां
आळो पिळो
साय पिळो
तुज्या दोळ्यांत
म्हजो दोळो

मोरपाखांर
भांगर निळो
अेकूच दोळो
दोळ्यांत कि ऽ तें... !

## दीस सोहनी

दीस सोहनी सुरांचो
दीस नदर तासांचो
दीस पयल्या वयल्या
ओंठा वयल्या
तांबशे पुनवेचो.

दीस सूर - साळिकांचो
दीस रक्त - सुवाऱ्यांचो
दीस पयल्या वयल्या
आंकरे वयल्या
शीरां - रंगियांचो

दीस भान सुंटलेलो
दीस दान सोडलेलो
दीस पयल्या वयल्या
पावटीच्या
करट सुटकांचो

दीस चिंतनाऱ्या जायांचो
दीस शिरशिर शियांचो
दीस पयल्यां वयल्या
दंवांतुल्या
किरणां - झुंबरांचो.

दीस तुका विसरलेलो
दीस म्हाका विसरलेलो
दीस पयल्या वयल्या
सासणाऱ्या
संग-सुवाळ्यांचो

## पुनव

मोन्यानीच झाडां
चाड्यांत भिजलीं
वान्याक लजलीं
मुरकत
मोन्यानीच झाडां
व्हटयेंत रात
कापूर सुवास
जळामळा
व्हडी रात आसा
हळद शेंदूर
न्हंयेचे देगेर
पांय - ओड
व्हडे राती आतां
हांव खडपार
मातयालें ल्हार
फुलवार

## पांच कविता

१

म्हांका गिरे जाय
तारे जाय
मृस्ट जाय
इस्ट जाय
दीस्ट जाय
कित्याक काय म्हणटा ?
म्हजे कडेन एक
मळब आसा... !
२
अपरूप रूप

धरता कूप
हांवूच कूप
विसरुन रूप... !

३

सूर जुळना
सूर जुळना
आनी मेळना
म्हजें कुळार... !

४

तळ नितळ पाणयां
तिचो पांय घसरलो
थळ उथळ मांडयां
तिचो रंग उसळलो... !

५

बरी सुंदर
बरी कोत्रायिल्ली
अस्तुरी पळयली कि
तिच्या आंगार
एक दशीय उरना... !

## सावुल गोरी

१

सावुल गाळींत
सावुल गोरी...
सावुल गोरीच्या
दोळ्यांक झालर
झालरिर जर
मोग किनारी
सावुल गोरी...

चुरवळ वंठ
हून सोनारी
सावुल गोरी...

भूल मलप्यांच्यो
पावूल वोळी
चित चंचळी
थिर थिर थिर
काळीज करी
सावुल गोरा...

सावुल गोरीचो
सोनांय मुखडो
पुनंव - चंद्रिम खडो
वतांत जिम - छिम
पिंपळ पाना आंकरी
सावुल गोरी...

सावुल गोरी
सदांच गाळींत
सर्वय सुर्न्दर माळी
कोणा कोणाचे
वसंत सगळे
एकठांय हाडून जाळी
सावुल गोरी

## सावुल गोरी

२

झडची पावशी शेन
तशी झळकत येता
सावुल गोरी...

भर दनपारच्या
तळटळ कडार

तिचे दिठयेंत सपन-पाकुलीं
वयता उडोन
सर्व्हींच भिरीं

सावुल गोरी
शब्दुल दोड वळणांची
सावुलगोरी
नकसुद म्हैमोगाची सांक्षी
तिच्या लागवणीनीं
मन - मोर घाल्ता
घाल्ता आंक्षी-भिक्षी...

## सावुल गोरी

### २

तय-चंद्रिमशी
झिर झिर सावुल गोरी

आंगार पानां
मन विळख्यांचीं
संगति धूंद आमोरी
सावुलगोरी

तिची नदर
भिर भिरी
आंगार आमच्या
काडटा भूल कोमरी
ही सावुलगोरी

सावुलगोरी
न्हिदांत येता
आंगाक तेंकून सामर्की
आनी शिरंतरानी

झङ्कं लागता
नक्षत्रांची चमकी

सांवार भरजरी
अशीच घाल्ता
घाल्ता सात्रुल गोरी

झडवन घाल्ता
पिकवन राती
फाटमणयांच्या
मदसून शिरशिर
चिरीत वयता गोरी
घालून सम गम घुरी
रे वयता सात्रुलगोरी

■

अभिजित

**ताण रे व्हडें ताण**

आनंदाचीं ल्हारां उबार
	दर्यार तुफान,
तारया रे, उखल व्हलें
	ताण रे व्हडें ताण

घेवन ओजें आसत येरें
	रगत साबार सांड
कातर धार सर मुखार
	वचूं गेल्यार प्राण

देंगवेल्यान धांवति साद
	रोयति माये-बाण
भंयां-काणयो कित्याक, आज
	भंयाचेरय ताण

कोणा शापान, भंगले दर्शन
	शेळ्या मुखार ध्यान
शिडा-दोर ताणून धर
	गाय निजा-सुरान

## अेकसुरीच म्हजी कथा

शब्दाविण छंदाविण अेकसुरीच म्हजी कथा
रानफुलापरी म्हजी नावांविण मौन व्यथा.
देखचें कोणे घेवंचें कोणे जायणी कौंतुकार
फुलारेचो घेवचो गंध राखचो उगडासान.
न्हय जाल्ली आशा म्हजी सदां उठून फांकता
दोळयां उबेर फुलता आनी मंचकार झडटा
किण्ण-भिण्ण सावळ्यांवरी वाट चुकून किर्ण जशें
हयन्हयशे, खीण तशें सरता उरीं लायत पिशें
न्हिदसुन्यांनी हांसतना सुवर्ण-खीण खळटा
ओठांर उतर धरचे आदीं मनीं मौन दळटा.

■

— अशोक काणेकार

## पुनव

दोंगरा माथ्यार
दर्या ल्हारार
आळवा पानार
पुनवे चांद्ने पळय
न्हिदलां कशें...
चुडटांत वादळ
मन म्हजें हुस्कारता
पुनवेचें चांद्ने पळय
न्हिदलां कशें...
जींव असो तळमळटा
रावूंक तुजे वेंगेत
पुनवे चांद्ने पळय
न्हिदलां कशें...

■

– ओलिविन गोमीश

## मनीस आनी कणस

मनीस
जशें भाता--कणस
शेतांत उबें आसतना,
जितलो जालो गिन्यार्नी
तितलो मनीस खालती ल्हान,
जशें भल्लेलें भाता कणस
नीट उबें रावनासतना
आपलेच पिकाळटायेन बागवता.
पुण जितलो पोलो पोको मनीस
तितली तकली वयर काढून
मारता हलक्यो फटाशी,
जशें पोल भाता--कणस
वाऱ्यार धोलत शेतांत तरी धीट उबें
जगता शेतांत मान वरशी करून.
मनीस
जशें तें भाता कणस.

■

– प्रकाश थळी

## दोन मोगिका

१

तुकाच लागून मागली रात
पुणून मुंच आयलीना
तूं आयली तेन्ना मोगाक
रातूच पावली ना...

२

चंद्र आयज खंय गेला ?
लिपला कुपात !
ना, ना, देंवला खाला
तुज्या रुपांत...

■

— सुरेश रामचंद्र पै

## बाळ म्हजो आयलो ना

फांत्या पारार गेल्लो बाळ अजून कसो आयलो ना।
वाट राकून थकलीं हांव जिवांत म्हज्या जीव ना। धृ।

सांज जाली गोरवां आयलीं
सवणीं घोटेरांत लिपलीं
झाडां–पेडां स्तब्ध जालीं तरी बाळ आयलो ना ॥ १ ॥

दिवे लागले घरां–घरांत
दुदा धार गोत्थ्यां–गोत्थ्यांत
निशा आयली तरी दारांत बाळ म्हजो आयलो ना ॥ २ ॥

रातकिडे रडूं लागले
घुघमान केले होड दोळे
पाखे न्हिदून जागे जाले तरी बाळ आयलो ना ॥ ३ ॥

नक्षत्रांक आयली जाग
काजुळ्यांचीं फुल्लीं बाग
कोणाक मारूं हांव गे वेंग म्हाका कांय समजना ॥ ४ ॥

■

— तुकाराम शेट

## गोंयचे मातयेचें उतर

गोंयचे मातयेचें उतर
वोटांत ॐ कारल्याबगर रावचें ना
जशे दिस आयल्याबराबर
सुकण्यांच्या चोचींतसून सूर आयल्या
बगर राव ना.

धांपिल्या पाटल्यापोंदां
कोंबो साद घातल्याबगर राव ना
तशें घातिल्या सांवटांपोंदां
गोंयचो शब्द आकाश जाल्याबगर
रावचो ना

म्हज्या गोंयच्या भावा
आमच्या मळबाक कळयाद ना
आमच्या गांवां गांवां
उतराचे चावयेन काळीज उस्तें जाल्या
बगर रावचें ना.

■

— विमल प्रभुदेसाई

## आमचें बाय

काजळा वीणी काळे म्हज्या बायचे दोळे
दांत न्हय गो आसती ते मोगरे कळे
हांसतल्या बायक म्हज्या पळौन
चंद्राचें चांदणे लेगीत गेलें लजून
म्हज्या नाजूक बायची कशी सोबीत चाल
उबाळेलें पावल बाये हळूच घाल
उलैता बाय म्हजें गोड गोडशे बोल
ताजे मुखार कसलें बाये साकरेचें मोल
बायगो तूं आयलें तशें हांसलें सगळें घर
अंबे, तुजी जागती नजर बायचेर दवर

■

— गजानन जोग

## केन्ना केन्ना स्टेजीर

नांदी सरून जेन्ना जेन्ना
पड्डो सरसरत वयर चडटा
काळखादारां फोडून म्हजें
मन दुसर उदेवं लागता...

कुडी बाजार माणून राती
जागोवपाची उमेद नासली
सावित्रीच्या दवरून पावलार
पावल म्हजी प्रीत आसली.

कातीर मोग करपी मनशान
म्हजें मन हुंगलेंच ना
म्हूर्तमणी दावल गळ्यांत
तरी लग्न जालेंच ना !

चार आंगळां पोटान म्हाका
थंय हांगा धांवडायलें
आंग विकून पोट जाळूंक
म्हजे दीस सरण जाले.

... अशे केन्ना केन्ना स्टेजीर
सीता आनी सावित्री जातां
कळटा नांटका पुरतेंच हें
तरीय जिवाक सुख जाता...

नांदी सरून जेन्ना जेन्ना...

■

सुरेश जयवंत बोरकार

## रात जेन्ना

रात जेन्ना मध्यार येतली
तेन्ना
 हृजेवरीच
तूंय हांस.
तू, गेल्ली खीण रमरून
हांव, येतलो खीण तेळून.
मागीर,
तूं वच, तुजे दिकेन
हांव वचन म्हजे.
तूं रिग तुज्यांत
हांव रिगन म्हज्यांत.

■

मानुयेल सी. रोद्रिगिश.

## हय, तें खरें

सोर्गीगज्यांथान हांसतात नेखेत्रां;
खोश्येन तांचेमदें नाचतात कुपां—
किदयाक जाता अशें ?
पैस थान सगळ्यांक तांकां हांव पळेतां.
हांव पळेतां तांकां ?
हय, तें खरें.
पुण हांव पळेताना, पळेताना,
तुजोच उगडास करतां.
धांवून येतात परमळाची ल्हारां.
मुगट्टात आपलेच भितर तांबडीं रोजां
कित्याक जायत तर अशें ?
तांच्यो पाकळयो पोशेतात म्हजीं चोटां
हांव पोशेतां तांकां ?
हय, तें खरें.
पुण हांव पोशेताना पोशेताना
तुजोच उगडास करतां.
संवसारांत खुशालकायेचीं गायनां;
मनशां मोनजातीचो खेळ थांबना.
कित्याक घडटा अशें ?
अवचित घुस्पोन हांव सपनांतलो उठटां.
हांव सपनांतलो उठलां ?
हय, तें खरें.
पुण हांव उठलां न्हय तांच्या धोवाळान—
तुजो ताळो आयकूंक ना जावन.

■

पुरुषोत्तम सिंगबाळ

## हृदयाच्या खोलांतल्यान

हृदयाच्या खोलांतल्यान
गीत म्हजें उसळटलें
ल्हारार ल्हार फुटलें
ताल गिताक धरतलें.

रगताचें जातलें उदक
घामान जमीन भिजतली
भांगराचे जमनींत म्हजे
मोतयां-कणसां धोलतलीं...

■

अॅन्थनी कुरंग्य पियेणकार

## असोच एक दीस...

असोच एक दीस
मागल्या दारयां
सकाळीं फुडें
कावळो येवन आडुता
कोण देवा येतलो काय ?
कोणाक उगडास आयलो काय !
हें फुट्टा, तें आपट्टा
मन भिरांतीन थारच ना
पिशा मना, जालां किर्तें ?
कितें तूं येवजिता ?
आमोरेर दिवे लायताना
जांब्रयेर जांब्रयो येतात
तोंड म्हजें वळटा
रातीकडेन चान्नें लखलखता
चंद्राक काळी कुपां ग्रासतात
दोळे ओगीच भरून येतात
कोणाचे यादीन काय ?

★

लुविस इनास मस्करेंण

## जेजू जाल्ले रातीं

भोंडवे अपार गोळ्या भोंवार
बाळका देखोन दृष्टीं
खुशालकायेन करतात गायन
संतोस सगळे सृष्टी
" जयो, जयो, तारक निधान
जयो, जयो, सुफळ मध्यान
जेजू जाल्ले रातीं "

चंद्रिम आनी नक्षेत्रांनी
मेळोन एके मतीं
सहस्र किरण लागीं करून
केली ताजी स्तुती
' काळोख आयच्यान पळोन गेला
निर्ता-सुर्यान उदेव केला
जेजू जाल्ले रातीं '

फुलां फुलतात, झरी व्हांवतात
माणके वेंबेताती
सुकणीं लेगुन घोंटेर सांडुन
संगीत-गाणां गायती
' नमो, नमो, देवकुमारा
सर्वय रचना कीर्तनकरा
जेजू जाल्ले रातीं '

गद्दाळायेन जाता गायन
घडल्या गजाल धरती !
संसारार, भुमिर वाऱ्यार
संतोस सगळे सृष्टी

■

### आंब्रोज द सांज

## फूल-कांटो

एकाच स्थळार जनन तांचें
पोसचें झाडय एकच एक
चंद्रिम आपलें चांदनें रातचें
फांकता तांचेर एकच लेक

तोच पावस, तेंच वारें
एकच तांचेर तापता वोत.
तरी या फुला कांट्या मदें
आसा केदी तफावोत !

कांटो तोपुन, बोट चिरून
नाजुक वस्तर पिंदतना
भिरमोत, भ्रमर, पिसोळ्यांचे
पांकटे आंग शिंदतना

फूल, भ्रमर पिसोळ्या त्या
गोपांत आपल्या खेळयता
रुचिक अमृत पिंवंक दिवन
संतोस तान्चो पळयता

सुगंध स्वादिक, सोबाय अदिक
पळवन काळजां उमाळतात
चडता फूल आल्ताराराय
कांटो सक्कट कांठाळतात

फुलावरी परोपकारी
जाशी, सर्वय मानतले
कांट्यावरी दारुण जाशी
सांगात सक्कड सांडतले

■

व्ही. द सौंज

## लुटकार

व्हय रे आपा, म्होंवा मुसा,
तूं हुबताय, तूं धांवताय
फुलांचेर बसोन
ब्रोंग्यांनीं रिगोन
म्होव हाडताय, जमो करताय

पुण रे आपा, म्होंवा मुसा
तो येतलो–
हो येतलो–
पोळी देखतलो–
मिटियो मारतलो
तुका धांवडावन
म्होंव व्हरतलो

वावर तुजो
फायदो ताचो मुरे !

■

शंकर रामाणी

## उजंगाराच्या पावसांत

उजंगाराच्या पावसांत
हांव चिप्प भिजलां
पुण आज
ताचो म्हाका खेद ना.
दोंगराकडेची
ही चिकटमाती मळून मस्तून
म्हजे हात-पांय चिखलान दाटल्यात
पुण म्हाका
ताची खंत ना.
ही माती घेवन
आजमेरेन हांवे कितलिशींच
बावलीं घडयल्यात
तुजींच बरीं-वायट रुपां...
आनी तुजोच कानमंत्र फुतफुतून
हांवे तांकां
उलोवंक, वावरूंक शिकयलां
पुण म्हाका
ताचो गर्व ना.
केन्ना केन्ना वारें-वादळ येता
आनी म्हणलो
हो बावल्यांचो बरो-वायट संवसार
खिणांत मोडटा,
नष्ट जाता...
पुण हांव निधींना
उजंगाराच्या पावसांत

दोंगराकडेची चिकटमाती घेवन
हांव नवीं घावलीं
एकसारखो घडैत आसतां
तुजींच बरीं-वायट रूपां...

## फुलें आंगार चाफ्या कळे

फुलें आंगार चाफ्या-कळे
मध्यान्हेचो भार
देगेवगर भरतेचें गो
फुटचें कशें ल्हार ?

नुलैत सरता रात; अशें
रागार कित्याक मांग ?
जोरगतीचे दीस आसून
उदक कशें भांग ?

## रात

रात अशी खांपुल्ली
लेय लेय झेमता दिवो
पावला-पावला काळखाच्या
खोलायेक अर्थ नवो...

अंत्राळाच्या हांथरुणार
वाऱ्या-मन पिरंगता
काजुल्याची जळटी जीण
खिणाखिणाक जागयता...

दोळयां-पातें घावना कशें
जागृतायेन हुलयतां
उतरां आगृन कळना कशें
काळीज कितें जियेता...

## उमाशेच्या मळबार

उमाशेच्या मळबार पळे
फुलती आतां फुलां--मळे
नदरेन तुज्या माळ्ळे सोबित
तांतले दोनूच मोगरे--कळे.

आयज म्हजी वासाळ व्यथा
फाल्यांच कळे ब्रावतले
घरा दारांत काळोख तरी
काळीज तुजें परमळटलें

खर म्हज्या निशेंवणेचीं
दोळ्यांत तुज्या पेटली दुखां
तांच्या धगान जिणेक आतां
उजवाडाचीं फुटटी पांखां

उमाशेच्या उपाट वेळार
काळोख खंय ? रात खंय ?
खंयची तूं ? खंयचो हांव ?
कळून म्हाका कळचें न्हय...

## हें अशेंच चलतलें ?

शेत नांगरून
रोप ओपल्यार
कितले दीस जाले
पुण अजून पावसाचो थेंबो ना !

शेकानशेक
अंत्राळ आनारून आयलां

श्वास खेळना
मन जीवेना
मळबाच्या काळया किट्ट
तुंबरलेल्या घुमटे पांदा
फक्कत घुसमट्टा,तळमळटा,तडफड्टा !

आज घोंटगांत बसून
हांव म्हर्जीच पांखा पळेतां,
सांसपितां,
तोखेतां,
पुण सांनसकाळ
उडपाचो हावेस पोसुनूय
मन फुलना
जिवांत जीव धरना;
हांगाची ही लटकी मायाच
म्हाका ओडटा
निशेंवणेची देख दिता
खशेंता...
हें अशेंच चलतलें ?
शेत नांगरून
रोप ओपल्यार
आज कितलेशेच दीस जाले
पुण अजून पावसाचो थेंबो ना !

■

भिकाजी घाणेकार

## हावेस

हात जरी घाले बांदून
मन म्हजें मेकळें आसा
तोंड जरी धर्लें धांपून
गीत म्हजें अमर आसा

जाय तितलें आसा धन
कंवळें आसा म्हजें सपन
हावेसाचें वाटेर म्हज्या
फुलां शिंपडलेलीं आसा

तुजें कांय नाका म्हाका
आशिल्लो भोग पुरो म्हाका
असुरपिके जिणेंत म्हज्या
फांतोड अजून जांवची आसा

विशाल आसा ही धर्तरी
नी हांव निजो पुजारी
फायच्या सपनांत म्हज्या
अपूप अशें घडचें आसा

■

चंद्रकांत पार्सेकार

## जिवीत

पावलां वाट जाल्या अशीर
कावळ्या – बॉंब घाणी राशीर
मळ्यांत आयल्यां काळीं कुपां
घरांत व्हांवतात सुकीं दुखां

ब्रा संवसारा, कसलें तुवें दिलां सुख ?
पानां–फुलां बगर हांव जालां रूख

वचत थंय दिसतात कोंडां
कित्या न्हंयचीं आटल्यां तोंडां
सोयऱ्यांचेंय वाजता सूप
केन्ना दिसत फुलां–रूप !

भिंयं नाका मनशा, हेय दीस वतले
पावलां–वाटो, बरे रस्ते जातले.

कुपांनी सुखा–झरी व्हांवतल्यो
कोंडां जातल्यो निर्मळ न्हंयो
कळयो अशोच उरच्यो नात
फुलया बगर रावच्यो नात

संवसारात तुकाय मेळतलें सुख
पानांफुलांनी भरून तुजो रूख.

■

भिक्रू ग्रोमी नायक

## रानकळे

फुल्लो कळो मोगरेच्चो
सोंपतो दीस रट्टा
मोनो कळो मोगरेच्चो
दिसाक सगलोच उसउसता.

×

भुलों नाका माडये
वारो हो मधाच्चो
केन्ना ख्यंय घालो घाल्तीत
ना तेच्चो भरवंसो.

×

शी....
शेणा थापो.... ?
आरे पुण
तोच्च करता सवळो !

×

काळजाचे पण्टेन
तुंवेंच वात पेटयली
पुण....
फुडें ती सारच्या वेळार
कित्याक फाटल्यान सल्ली ?

×

कांट्यांनी वेंष्टिल्ल्या फुला !
आतां तूं
कोणाकुय भियेना
तुका सगळे किंकोत

■

तेनसिंग रुद्रीगिश

## मायेचे धागे

वमरेवेल्या वांशाक
सरयांचें पांजरें लांबता
पांजऱ्याच्या सरयांभितर
साळोरे--पील तडफडटा
म्हजे--सरीं येवंक

पिशा साळोरे--पिला !
कित्याक गो तूं
सरयां--पांजरे सोडून
मायेच्या जाळयांत
शिरकूंक सोदता ?

आगो पिशा,
तिळ्याच्यो सरयो मोडटीत
मायेचे धागे तुटचे नात
तूं सदांच बंदें उरतलें
जीण सोंपमर

## गेल्ली दनपार

काल हांवें
सूर्य पळेलो,
रसरसतना,
धगधगतना;
थेट माथ्यार
दनपारच्या भारार
दोळे वळसर
मन भाळसर

म्हणुनूच आज
दोंगुल्ले आड फांकतलें
फांतें म्हाका दिसता.

■

नागेश करमली

## दर्यावारो

दर्यावारो येवन ल्हवान
मुमुरखेंच हांसून गेलो
चंदनाचें गीत तुजें
रिते जिणेंत झरोवन गेलो !

दर्यावारो येवन ल्हवान
गुपीत म्हजें जिखून गेलो
फांत्या पारा स्वास तुजो
काळीज म्हजें भरून गेलो !

दर्यावारो येवन ल्हवान
ल्हवच म्हाका खुणावन गेलो
येवंची आसा तूं म्हणून
पिशाभाशेन सांगून गेलो !

## तापांनी दोळे पानेले

पेल्याच्या तापांनी दोळे पानेले
मायेपासांकूय काळीज कळेलें
अशयो जीणो—
कोमून कोमून फुलताना
हांगा—
महामुनींनी मनशालें सूक्त आळयलें !
उतरांनी त्या
जाग येतां येतां
आमी आमकांच केन्ना तरी

विसरून गेले !
त्याच वेळार—
पेल्याच्या तापांनी
दोळे पानेले
काळीज कळेलें
तुगेलें म्हगेलें, तुगेलें म्हगेलें !

## अेक पावसच जालो म्हजे जिणेचो—

अेक पावसच जालो म्हजे जिणेचो—
झडलीं म्हजीं सगळीं झाडां त्या थंयच्या रानां;
परकीं जालीं म्हजींच म्हाका गांवां
उल्यावयलें घर आनी वळखीच्चींय नांवां !
आतां,
शारा मदल्या विस्कळ वाटांचेर
केन्ना केन्ना, कोण कोणय गावतात
अनवळखीच पुण नुरा करून
सगळे सोडून ते पयस—
पयसुल्या त्या रानांचीच खबर करतात;
थंय खंय त्या झडिल्लया झाडांच्यो
राती पाचव्योच जावन अजूनय वळटात !

## सगळे अशे वगी कशे ?

आज कोणूच उलयना
आज कोणूच वथरेना
आज कोणूच जळपेना
आज कोणूच व्हळपेना
आज कोणूच तळफेना
आज कोणूच व्हरपेना
आज कोणूच किंवाटना
आज कोणूच बोवाळना

आज कोणूच उलयना
अशीं कशीं काळजां
सगळीं पडलीं वगी !
मना--कवडां धांपलीं कोणें ?
धल्ली कोणें गोमटी अशी !
गची कोणे अंविली !
मडयांवरी पाडून आड
कोण मस्ते —
हडुयार अशे बसले तेळीत !
आज कोणूच उलयना...
उलयन दिसना !
कि उलोवंकूच येना !
त्राग वित्राग
हडुयाच्या कप्प्यांतले
कसो तांचो जायना फार !
कशीं वगी पडलीं मनां—
काळजां–उजो धगधग
खंयच कसो उसळना !
एकूय वाचा
कशीच कित्याक फुटना !
जळिल्लि, धगधगिल्लीं
धगा बगरूय पेट्टालीं
सगळें सामकें पेटोवन दितालीं
खंय न्हिवलीं तीं काळजां !
आज कोणूच कसो उलयना !
कसलें मौन पडलां हांगा !
मोनेळेच्या दावकुलांत
कोण घुंवळून पडले हांगा !
आज कोणूच उलयना !
जालां कितें ?
काळाकूय खमून
कळिकाळाकूय धिस्पटावन
काळजांची सरी

तुटूनय तुटनासली;
पोट तिचो
अकस्मात सांडलो खंय !
पडलो खंय ! तुटलो खंय !
खंय ! ! !

सगळींच काळजां वगी कशीं !
सगळींच मनकवडां धांपलीं कोणे !
कवडांच्योय वणटी केल्यो कोणे !

कसले ते हात !
खडप उबारपी...
चिरे दाळपी—

चुनो कालोवन,
" धांप दोळे, धांप मन, बंद कर वाचा "
अशे सोडीत हुकूम
निश्ठुरायेन
उकत्या मनांक
मेकळ्या काळजांक
ह्या वणटिंच्या रेवाड्यांत
घुसावन घालपी—
कोण ते ?
खंयचे ते !
कितें तांचो अधिकार !
खंयन्नी तांची बडाय ?
बडायेच्या भोंवस्ताळ्यांत
घुंवळटां घुंवळटां
जित्यांनीच मेले सगळे !
खतखतून खतखत्ताले
उतरा उतरान
मळब पेटयताले
हुंकारा हुंकारांतल्यान
खडपां कडयताले
माती सळसळायताले
माती खळखळायताले

सावदां खेळयताले
सुकणीं उडयताले
एका उल्यान
मौस हालयताले
ते उले—
तांकां जल्माक घाल्पी
मनां,
धगधगपी काळजां
सगळींच कशीं वगी ?
मौनाचे गरयेक सगळीं
आजच कशीं शिरकलीं ?
किंत म्हणप ?
—आमी मेले ?
—आमी जालेच नात ?
हे मातयेंत रंगलेच नात ?
कितें ? !
अजाप मूं !
सांगात-सांगात—
भंय भिरांत सोडून सांगात—
हांगा अशें
अजाप घडलेंच कशें ?
म्हणटकच,
आज कोणूच उलयना...
खुबून कुदून
वगी वगी ह्या मौना आड
येना कोणाकूच भार...
एक सांवाराचो भार...

नाका तेन्ना
तुमी किंतं किंतं उलयले
मनाय परस मांडे चड केले
काळजांय परस गोंडे चड घाले
आज कोणूच उलयना
थरेना

विलापना
कुथणना
न्हय म्हुण
च्चिटमिट्टून किळांचूय मारिना !
कितेंच कशें आयकना...
उकते कान...
हय, ते फकत म्हणटात
—" तूं आयक...
आयक, आयक
जाप नाका !... शू ! !
पर्यी जाय नाका...नाकांच ! ! !
कळ्ळें ! "

ही कोण शेंवर्डी पोरां
बोवाळटात
तुका म्हाका
कातले कुडक्यान फटयतात
ओय, चोय, ओय, चोय...
" खायाय मराय,
" खायाय मराय "
अशें म्हणीत म्हणीत
वयले वयर मिरयतात
आनी तरी
कोणूच उलयना !
सगळीं मनां वग्गी कशीं
एकाच खिणा
हे सगळे प्राण
एकाच धपक्यान म्हेळशिले ?
मेले !
मेलो सगळो किंवाटो ?
मेलो सगळो सांवार आकांताळो ?
मेलो सगळो ?
जड्डे बुड्डे
सगळेच कशे

एकेच घटके ल्हैंवटे जाले ?
गोड कातलेक भुल्लुसत
नाखां कापून
वांगेमुळा उमथे मानेन
निजा धर्मा विकून गेले ?
ल्हैंवटे म्हणटात ते
अशेच आसतात काय ?
कोणूच कित्याक उलयना ?
अंवल्यो सगळ्यो शिरो
अंवली उतरां
वाचाय अंवली
खंयच्या म्हणून भिरांकुळ्या
घोलिनी
हीं सगळीं प्राण-मनां
राशी मारून
राघलीं दमून—
कोण म्हळ्यार, कोणूच उलयना ! !
सगळे सामके वग्गी करो !

■

एन्. शिवदास

## आमी

आमच्या मर्दीं येवचें कोणें ?
आमच्या मदल्यान वचचें कोणें ?
माध्यावेल्या पेट्टया होमकणांत
जळपी आमी जिते दाणे.

आमकां कसली गा पर्वा
थैंबोभर थुंकयेची !
अस्मितायूत्र जावन गेल्या
सगळयां खातीर जळपाची.

आमचो गोंबोर जातलो, जाणां
पर्वा ना, जळपी आमी
जळून जळून सदांच गा
तुमच्या मर्दीं उरपी आमी !

## आमी येतात

आमी आतां येतात
तुमी पयलीं आयिल्ले
आमी आतां चलतात
फुडें तुमी तेन्ना धांवताले
देखून आतां खरशेल्यात
मात्शे रावात—
आमकां वचूं दी.
आमचो तिंवो आमकांच घेवं दी
ही शेता मेर
हांगा आमी रव घाला

ही भाटा पेळ
पेळेर आमी कवाथो लायला
पान कुदळीन सावळ रोमल्या
थंय बाडवडलांचो घामा – वास
तुमी ताका घाण म्हणटले
तुमचीं रानां आमी बेणल्यांत
तुमची मळां आमी शिंपल्यांत
तुमची मनांय आमीच राखल्यांत
इतलेंय आसून देख नाशिल्ल्यांनो
आमी येतना वाटेर पडूं नाकात
आमी रावचे नात
मोस्तून तुमकां वच्च्या पयलीं
मनीसपणाक जागोवन घेयात
तुमी कोणय जावं
खेत्री जावं हापशी जावं
आमचो मेळो आमी व्हरतले
आमी आमीच रावतले.

## आंकवार आमोरी

तंद्री म्हजी भंगली तन्ना तूं आंकवार आमोरी
फायचें उतर दिवन तुंवे बाये तकली बागयली
सुर्या – किर्णा जीर्ण जावन रात आपयली
इन्द्रा–चंद्रा सांगणं करून पुनव आंगयली
काळखाच्या धुंग्रेन गाडगे उपाट भरिल्ले
चान्याच्या तळ्यानीं ओतून वडयले
जळींमळीं वयल्या आळीं मध्यान वियेली
कोणे फांल्या पारा म्हज्या काळजांत रकयली
आंगार म्हज्या पांगरुणां चिप्प भिजलेलीं
तुवें दिल्ल्या फायच्या सपनांत रात जागयली
तुजी वाट पळेतां बाये सकाळ उदेली
खंयच्या तरी म्हूर्तार तुका माळ घालचेली.

## गळसरी

फांत्या पारार तळय सोडून खाणीर चलताना
सांगलें थांब्रूंक कोगळा गळ्याक गीत गायतना
मोने जाले अचरयां सगळे संवगडी
व्हांवतो व्हाळ थांबलो, थप्प जाल्यो किडी
पलतडी, तेन्ना तुजे उले आयकले
उल्याक तुज्या जाप दिवंक स्वास गुस्पले
तुजेसरीं येवचें थारावन बांदली सोडयली
पाटभरून व्हांवत्या उदकांत पावलां बुडयलीं
भरून कळ्ळें माथ्यार ओतून आंग भिजयलें
पिंपळा पोंदच्या धगाक धरून आंगलें सुकयलें
हांव हांगा आलतडीं, पयस थंय तूं पलतडीं
उपाट व्हाळार दोनय कांठार घालतां खोपाडी
म्हुजे जापेक आयलों ब्राये वेंगेत धर तरी
म्हजे जिणेक बांदची तुवें रसमा- गळसरी

■

ग. क. तळवडकार

## हेंच म्हाका कळना

मैफलीचे धुंद नशेंत हांव परततां
‘ वसंत-बहार ’ चे आयकले सूर
ओंठार आळैतां;
कडेन कोणाच्या आकांताक आयल्ला पूर
तो म्हाका आयकूंक येना.
हांव कोण--हेंच म्हाका कळना !

चलतां वाटचाल जीविताची
हाता पायांच्या आधारार
अक्कल हुशारीच्या भरंवशार;
वाटेर अडकून पडिल्ल्या लंगड्याक
म्हजो आधार--भरंवसो ना :
हांव कोण -- हेंच म्हाका कळना !

होटेलांत बसून जेवतां, भरलेलें ताट
जिलबी, शिरो, पुरयांनी;
भायर भिकारी ताठ
आशेल्ल्या दोळ्यांनी,
तो म्हाका दिसना :
हांव कोण--हेंच म्हाका कळना !

भुरग्याक म्हज्या मातशें खरचटल्यार
घरांत जाता हुयेल, आकांत;
दुसऱ्याचें पोर पडल्यार बांयंत
हांव हांसना—
पुण रडयना.
हांव कोण–हेंच म्हाका कळना.... !

## खरें म्हळयार

झेलल्या माडांचो ताल
डरांव बेब्याचो सूर :
पावसान गायलो मल्हार
न्हंयो, व्हाळांक हुंवार – पूर

*

भिजलेल्या कूपांनी
आपलें आंगाचें पिळलें :
जमनीची भागली तान
मनशाचे पोट भर्लें

*

मिर्गाच्या कुपांतल्यान
सूर्यान माल्लो दोळो
जमीन लजून हांसली
पिकलो सगळो मळो

*

जमीन न्हाताली
सूर्य लागलो पळौंक
ढगांनी लज राखली
केलो भंवतणी काळोख

*

तण खालें गोरवांनी;
पाडकांक फटैलें भुरग्यांनी !

## कित्याक काय...?

फुलां कित्याक फुलतात ?
दुखेंतल्या कांस्यांक सुखौंक काय ?
वारे कित्याक व्हांवतात ?
व्हांवत्या मनाक थारावंक काय ?

कित्याक पावस पडटा ?
धरतरीचे पाप धुवंक काय ?
धुलें पाप ताका मेळटा;
म्हणून दर्या खवळटा काय ?

नखेत्रां कित्याक लिकलिकतात ?
मळबातल्या मामाक भियेवन काय ?
मामा कित्याक गार पडला ?
तापिल्ल्या सूर्याक पळौन काय ?

प्राणी, मनीस कित्याक जगतात ?
येतल्या मरणाक जागोवंक काय ?
मरण कित्याक बेगीन येना ?
संवसारांत यातना भोगोवंक काय...?

■

उदय भेंब्रो

## चान्न्याचे राती

चान्न्याचे राती माडांचे सावळेंत
सारयल्या सोबीत मांडार
हातांत घाल्न हान नाचूंया गांवया
घुमटांच्या मधुर तालार ॥ धृ ॥

किर्णां चंद्राचीं शितल घेवंया माथ्यार
फुलांच्या वांगडा धोलया वाऱ्या ल्हारार
झाडाचे तेंगशेर कोगळाचो घोंटेर
पिलांकूय गावं दी गितां आमच्या सुरार ॥ १ ॥

उतरा मोगाचीं शिंपया पिकाळ शेतांत
रोंपले खोशेचे गेवंया पोर्सा - मळ्यांत
शेवण्यांची भिरीं मारतलीं भोंवर
राखतलीं शेतां भाटां बसून रुखार ॥ २ ॥

हायसांची जोडी कशीं पेवंया तळ्यांत
सपनां जिणेचीं चोवंया मळब–दोळ्यांत
माणसुकेचे गीत जिविताची रीत
गावन जागोवंया संवसार फांत्या पारार ॥ ३ ॥

## येवचें तुवें

येवचें तुवें काळखे राती
न्हेसून शालू काजुल्यांचो
नक्षत्रांचीं मोतयां शिंपीत
व्हलैत पोनेळ चंद्रिमाचो

येवचें तुवें लावंक पिसें
हांसत हांसें केळफुलांचें

यादस्तीच्या वाळी पानांर
म्हॉवाळ दंवा-ओलसाणेचें

येवचें तुवें लावन पांखां
पिटकोळेचीं केसरी फितां
न्हंयचे देगेर शेता कडेर
साळोरेची गायत गीतां

येवचें तुवें घेवन ओंठांत
चार थेंबे अमृताचे
झोपून घेतीत ओंठ म्हजे
जोडूंक नातं युगायुगाचें

## आनी मात्सो राव

वात सोपूं रात आसा, आनी मात्सो राव
तेल जळूं मोग आसा, लागचो नारे थाव
म्होंवें तुजें मोगा उतर
काळजा करंड घेता भरून
नदरेंतलो सुरमो शितळ
दोळ्यांत म्हज्या घेतां रेखून.
अधुपांचो कांटो आंगार, उमाळ्याचीं फुलां मनार
श्वासाच्या वासांतच रंगला पळे दाव
सप्तरंगी सपन जिवें
भेट तुजी संजीवनी
सप्तसूर गायता आज
कालचीच जीण मोनी
खिणयाळीच आयची रात, फायच्यो रातीं सोपच्यो नात
राव आतां फांत्या पारार जावचें आसा साव.

युसूफ अ. शेख

## सपन

कोण हें गोपांत म्हज्या खंयचें सपन ?
        आंग मोडत, पांयजणां वाजयत

कोण हें येवन घणघणावपी म्हजें आंगण ?
कोण हें बसोवपी लजत आपले कुशींत म्हाका ?
कोणाच्या ह्या ओंठार घोळटात मोगाची म्होंवाळ गीतां ?
कोण हें रोखडेंच भेस बदलून घालून एन्. सी.सी. ची बूटां?

कोण हें आयलां सावळी जावन विसरून जाती पाती ?
हे मोटे दोळे काय कोपां तुस्त सोन्याच्चीं ?
ह्यो हळुयार फांतयो काय गांतणी खांवच्या पानाच्यो ?
ही ताच ओठां काय आंबट चिंचे बोटां ?
हे ताचे दांत काय चिंचारी [ सोलिर्लो ] चिवपाची

        आनी पा्यांत ताच्या
        पायांत ह्यो घागऱ्यो नाचपाच्यो
        काय सांखळ्यो म्हाका बांदपाच्यो ?

## ओ रे सोय

ओ रे सोय, ओ रे सोय
मांडांत नुस्तें उडटा चोय
उडक्यो मारीत शेवळ्या पिलां
माणकां मोतयां शिंपता पोय
        ओ रे सोय...

धुमटे धुंदीर, कांतरा तालार
चल गा तित्रा सोडया गंवण
रापण ओडून नुस्ते मारून
रसरसीत गुंथया गांथन
दिसवडो आमचो जोडया गा
धादोसभरीत जावंया गा

पेजे घोट मारून आमी
करया धावरु सोय सोय
ओ रे सोय...

खरखीत दर्या रेंवेर
नुस्तें बाये फडफडटा
बांगडे, ताल्ले, खांपयो पळोवन
जिबली करी हुडकेता
मुड्डूशांच्या वांट्यार पळे
दुमगा चलयेन माल्ली झोपय
चल गो मानां भर पाटें
नुस्तें बेगीन पावय पावय
ओ रे सोय....

जीवित आमचें खारव्यांचें
मेकळया वाऱ्यान धोलयाचें
सोऱ्या घोंटार, घुमटा थापार
उकळ्या मळार नाचपाचें
गिरेस्त आमी चुट्टां खोपयेंत
धादोशी नट्टा आमच्या दारार
अेकचाराच्यो धाती पेटोवन
गायतात आमी व्हलय व्हलय
व्हलय व्हलय होडेकारा
व्हलय व्हडें व्हलय व्हलय
ओ रे सोय....

■

प्रकाश पाडगांवकार

## पुणून तूं आयलोच ना

तूं म्हज्या हातांत
उजवाडाची मशाल दितलो म्हूण
कितलो वेळ हांव
काळखांत मुखार हात करुन
वाट तुजी पळयत रावलों.
म्हाका सगळें मळब पेटोवपाचें आसलें
पुणून तूं आयलोच ना.
... मागीर उजवाडलें हें मात खरें.

## महारूख आनी हांव

तांबडेगुंज मातयेंत
युगां युगां पांय रोवून
उबो राविल्ल्या महारुखा !
तुज्या मुळांचे फांटे खडपां फोडीत
पाताळांत खंय खंय पावल्यात,
तुज्या मुळांच्या फांस्यां भितर
नवे फांतोडेचें रसायण जल्म घेता
हाजी कोणाकूच खबर ना !
सगळ्यांक दिसतात ते तुजे
चार दिशांनी फांकिल्ले चार फांटे.

तुजे जिर्णेत खोटांनी दीस उदेवन
अशेच अस्तमल्यात
तुजे आंगार दुखा-सुखांची सावळी घालीत
रुतुचक्र घुंवत आसा,

ताकापसून तुज्या मुळांभितर
तयार जाता त्या रसायणाची खबर ना !

तुज्या मुळांतल्या ह्या रसायणाची फांतोड
नवो जयजयकार करीत उदेवन
तुजो सगळो रूख उज्यावरी झगझगतलो,
तुज्या जण अेका पाना–पानाची अेक अेक फांतोड जावन
तुज्या सगळ्या आंगाक तेन्ना
लाखांनी दोळे फुट्टले,
आनी तुजो उगवाड
धाय दिक्कांक उजवाड दीत फांकतलो
तेन्ना तुज्या मुळांकडेन
संवसारांतल्यो सगळ्यो न्हंयो येवन
अेकामेकांत विरगळून अेक जातल्यो
आनी तुजी नवी अजरंवर जीण सुरू जातली.

नवे फांतोडीचें रसायण
मातयेंत लिपिल्ल्या तुज्या मुळांभितर
तुज्या सुप्त लिपिल्ल्या आंगांत शिजता
हें हांव जाणां, महारुखा
देखून हांव तुजे सावळेंत शीण घालोवंक येतां
जीण जागोवंक येतां.

## उजवाडांच्या पावलांची अेक कविता: मृत्युपत्राभशेन

वाऱ्यार हुबिल्ले मातये–मातयेचे धाम हुंगीत
हांव प्रसन्नचित्त जावन भोंवतां
म्हज्या मुप्त मनाक जागयत.

कितें दिसता तें अळंग नोंद करून घेतां
नदरेचे लिखणींतल्यान मनाचे डायरींत.
... हांगा जण अेका मनशाची जीण म्हळ्यार
अेक अेक महाकाव्य.

हांगा दीस दुडवांच्या नेटार उदेता
आनी रात माजरा पावलान येवन
धर्तरेक आडवी न्हिदयता.

येतात फुलून सातरंगी रुतु
आनी सुट्टात वास रानांवनांक
गरीबांक हांचो खंयचो वांटो ?
तांणी फकत येता तो वास हुंगपाचो आसता !

आपल्या फुडाराचो दिवो सोदीत
भोंवतात हांगा मनीस
जिव्या सांपळ्यांवरी,
आपले सावळेचो आधार घेत.

हांगा लोखणाची घटसाण पळोवपाखातीर
गरजेवंतांक हत्यार जावंचे पडटा
अडिल्ल्या--नाडिल्ल्यांचे जिणेचें रसायण करून
प्रयोगशाळा चलता !

हें सगळें म्हजी नदर
मनाचे डायरींत नोंद करून घेतना
म्हजोय अेक हुंडको
मळबाच्या आरपार वता
आनी—
फुडाराच्यो कुरवो पारखुपी
म्हज्या काळजाच्या एका दारांतल्यान
आवाज येता :

“ येतलो; उजवाडाचीं पावलां घालीत
नवो दीस येतलोच येतलो;
ह्या चित्र-विचित्र वास येवपी मातयेन पचयल्यात
उपेक्षीत- उंबाळिल्ल्या लोकांच्या दोळयांतल्यान
व्हांविल्ले दुकांचे चंद्रीम
केन्नातरी धंडाचे सूर्य जावन उदेवपाखातीर ”
तेन्ना हांव आसन वा नासन.

... आतां हांव ह्याच काळखांत जियेतलों

कालमेरेन हांवें,
झगझगीत उजवाडांत रावन
भेळशेल्ल्या काळखाची निंदा केल्ली
आनी,
आयज हांव अचकीत
ह्या काळखांत खोल बुडून गेलां.

युगानयुगां म्हज्या आंगार दाटिल्लो
उजवाडाच्या धुळाचो थर विरगळून
आंग सामकें हळूव जालें,
मनाच्या रित्या मळबांत
लाखांनी नखेत्रां पेटलीं
शीम-मेर नाशिल्लीं
कितलिशींच मळबां उकतीं जालीं...

... आतां हांव ह्याच काळखांत जियेतलां.

■

माधवी सरदेसाय

## मिठा - कणी

मिठाची कणी हांव
दर्या भेटेक गेलीं.
दर्याक हात लायना फुडें
दर्या येदी जालीं.

## फूल हांव पोरसांतलें

हांव फूल अेक पोरसांतलें
मोगरे ताळयेर फुलिल्लें
वाऱ्या वांगडा धोलतालें
वोता वांगडा हांसतालें,
परमळ पियेवन मातयेंतलो
शेवण्या वांगडा गायतालें
फूल हांव पोरसांतलें...

अकस्मात घडलें कितें
कळना म्हाका...
ओता वांगडा खेळपी वाऱ्यान
आयज ल्हवूच म्हाका विचाल्लें;
... पोरसांत तुज्या भोंवपाक ह्या
कोणाक विचारचें बी पडटलें ?...
उडत, नाचत गावपी शेवण्यान
भियेत भियेत निमगिलें,
' मेकळेपणान गावपाक हांगा
कोणाचें परमिशन बी घेवचें पडटलें... ?

जालां किंत ?
कळणा म्हाका...
मेकळेपणान व्हांवपी वारो
येना कित्याक पोरसाभितर ?
शेवणीं कित्याक गायनांत गीतां ?
ओताक कित्याक हांसूंक येना ?

फूल हांव पोरसांतलें...
ओत, वारो, शेवण्या वांगडा
खळखळून हांसतालें...
परमळून गायतालें...
पुण...
आयज घडलां किंतं कळणा म्हाका...
हांव ताळयेवयलें झडलें ?
वावलें ?... सुकलें... ?
काय,
जड कोणा पांया पांदा
फुलचे पयलींच चिडुलें ?

■

### सुहास दलाल

## पुनवेची जाली उमास

सदांच गो तुजें हांसतें मुख
        पुण आज गो कित्याक उमासं काळोख ?

कपल गो तुजें सदांच गोरें–धवें
        पुण आज कशें ताचेर मावले–जाळें ?

सदांच गो तुज्या खळी पोल्यार
        खंय गो गेलो तो उदका–भोंवर ?

भोंवी तुजी जसो उरफाटो चंद्र
        पुण कशी जाली ती आडवें प्रस्नचिन्न ?

मंडोळी तुजी जसो गुंजेवेलो काळो तीळ
        पुण आज कशें केलें थंय गिराणान बीळ ?

व्हांवत्या व्हाळांत पडिल्ल्या चंद्रिमावरी तुजें हांशें
        पुण कशें गो पडलें आज ताचेर लाशें ?

समजलों, म्हजे तुका लागलां पिशें
        लटक्या रागान ओटांत अंदून धल्लां हांशें !

## चित्र तुजें काडलों म्हणटां !

चित्र तुजें काडलों म्हणटां
        पुण काडच्या वेळार सामको शेण्टां !

चितारूंक तुज्या मुदयाळया केंसांचो भार
        पोंसो मारून हाडूं कसो सांग व्हार !

म्हज्या–तुज्या मोगाची तुज्या दोळयांत दाटी
        नाजूक भाव हो रेखूंक चित्रकला म्हजी थोंटी !

ओठावलो तुज्या दाखौक हांमो
दर्याचो फेणेर सांग हाडूं कसो ?

रेखपाक तुज्या दांतांच्यो माळी
खुंटची पट्टली म्हाका मोगरे-कळी !

रंगौक तुजे रोसाळ ओंट
पुंजावचें पट्टलें म्हाका पिकिल्लें घोंट !

चित्र तुजें काट्टलों म्हण्टां
पुण काडच्या वेळार सामको शेण्टां !

चित्र तुजें तुका मगो जाय
जाल्यार आसा सामको सोपो उपाय
दोळ्यांत म्हज्या नदर लाय !

## अशें कशें तूं गो मना ?

कापशीणीचे म्हातारेवरी तूं गो मना
अेक सेकंद अेका जाग्यार कशेंच थारना !

आतांच थंगा, आतांच हांगा
केन्ना घोग्या, केन्ना धगा !

सामकें हाताकडेन तूं पावता
फुट्ट करून मागीर वैर उफेता

अभ्यासांतलें मन म्हजें तूं खंयच्याखंय भोंवडायता
अभ्यास जायना जातगीर म्हाका तूंच उलैता !

कितल्या फावटी शिटकायलें तुका तांगेर वचनाका
पुण थंय गेले बगर चैन न्हीद पडना तुका !

असो कसो आयला तुजेर सांवार ?
तुजे फाटल्यान धांवून जालों हांव बेजार !

नक्षत्र पांयार पडिल्ल्यावरी तूं करता
तुजे फाटल्यान धांवूंक लावन खरस म्हाका हाट्टा !

ह्याचेफुडें सांगतां तुजे फाटल्यान धांवूंक म्हाका फावचेंना
हेवटेन तेवटेन हेड्डूंक ह्यांव तुजेभशेन वेकार ना !

न्हिदेंत लेगीत तूं म्हाका धोंसता
वेगवेगळ्या सरनांतल्या देशांनी पावैता.
न्हिदेचें म्हजें खोबरें करून तुका किते मेळटा ?
अेका जाग्यार बसनाजाल्यार तुका कोण शिण्टा ?

कापशीणीचे म्हातारेबरी तूं गो मना
अेक सेकंद अेका जाग्यार कशींच थारना !

■

दिलीप बोरकार

## रातीचें गुरवारपण

गुरवार रातीच्या
जेन्ना
पोटांत दुखता
फांत्यार
तेन्ना लजून पळेता
अेक अस्तंत झाड
तेज गुरवारीचें !
जड जाल्ले रातीच्या
पोटांतल्यान
धंसरता बाळ सूर्य
तांबड्या क्षितिजाच्या हातांत
तेन्ना तें झाड
खोशयेन हांसता
हालोवन आपली
भांगर–रुपेरी पानान् पान.

## दोन सांवरी

अेक सांवर
दुखी
पिसुडलेली, झडपिल्ली
सैमान बलात्कार करून लेगीत
बोंडा खातीर जियेवपी
आनी
अेक सांवर
दुख जैती
नवी आंकरी फुट्टून.

## रातीच्यो कविता

चान्ने राती
तुवें हांवें
नखेत्रांच्या शब्दांनी
दुदाळ मळबार
मोगा कवित रचलें
पुण....
कोणेतरी दुश्टान
सूर्याच्या हस्तरान
सकाळींच पुसलें

*

काळखा–पदराक
      नखेत्रां चमक्यां चोंबो
मळबा कपलाक
      सोबीत चंद्रा तिबो.

■